मनू

पुंडलीक नायक

मनू

बरोवपी

पुंडलीक नारायण नायक

जाग प्रकाशन

कोंकणी भाशा मण्डळान (गोंय) १९७९ त अंतरराष्ट्रीक बाळक वर्सा निमतान जाहीर केल्ले सर्तींत दुसरी तस्रीप फाव जाल्ली नवलिका.

Jaag Prakashan : 43

MANU

Novelette

Written by : Pundalik N. Naik

International Year of the child : 1979

जाग प्रकाशन : ४३

अन्तरराष्ट्रीक भुरग्यांवर्स प्रकाशन : १२

उजवाडावपी वर्स : १९८८

© हेमा पुं. नायक

मोल : पंदरा रुपया

उजवाडावपी :

सुमन्त रामचन्द्र केळेकार

जाग प्रकाशन

प्रियोळ, म्हाड्डोळ

गोंय – ४०३४०४

छापपी :

मा. गो. जोशी

आनंद मुद्रणालय

१५२३, सदाशिव

पुणे – ४११०३०

उजवाडायतना

मनू हें पुंडलीक नायकालें एक वेगळेच तरेचें पुस्तक. हें न्हय माणकुल्या भुरग्यांखातीर बरयल्लें, न्हय जडड्या जाण्टयांखातीर. हें आसा वयार येवंक लागिल्ल्या १२–१५ वरसां पिरायेच्या आडसाटचा तरण्या भुरग्यांखातीर बरयल्लें, धाडसा–कर्तुपांचें दर्शन घडोवपी. मनू हो एका गरीब धाकटचा कुटुंबांतलो भुरगो गांवाखातीर, शेजाऱ्यां खातीर जे तरेन वावुरता आनी तांकां उपकरा पडटा ताची वर्णना ह्या पुस्तकांत सात वेगळयावेगळया घडणुकांनी वाचूंक मेळटा. आठवी घडणूक आसा ती ताच्या कर्तुपांचें कौतूक जाता त्या प्रसंगाची वर्णना करून. कोंकणी साहित्यांतलें हें असल्या विशयाचेर बरयल्लें पयलेंच पुस्तक म्हणपाक जाता.

पुंडलीक नायकाक गांवगिऱ्या वाठाराची खुबच बरी जाण आशिल्ल्यान जण एक प्रसंग जितोजिवो करून मांडपाचें कसब ताका बेस बरें सादलां. माध्यमीक शाळांतल्या भुरग्यांक हे पुस्तक भौच मानूंक जाय. चड करून शारी वाठारांतल्या भुरग्यांक गांवच्या वातावरणाची वळख करून घेवपाक ह्या सुपुल्ल्या पुस्तकाचो जायतो आधार जातलो अशें मानपाक हरकत ना.

ह्या पुस्तकाचें म्हत्वाचें आंग म्हळयार हातूंत बरोवप्यान गांवगिऱ्या प्रस्नांचेर उपाय सोदतना शास्त्रीक नदरेचो आधार घेतिल्लो आसा. गांवगिऱ्या लोकांची स्रद्धा ही आसता दोळे–फुटकी. नखलामींचेर तांचो भावार्त आनी ताचेर तांचो उपाय म्हळयार देव–देंवचाराची उपासना. ही असली नदर ह्या विज्ञानीक युगांत आसप समाजाक परवडपाचें ना. पूण ती तशी अजुनय आसा ही गजाल खरी जाल्ल्यान मनूसारक्या गांवगिऱ्या तरनाटयानच ताचेर उपाय सोडून काडचो पडटलो हें ह्या माणकुल्या पुस्तकांत दाखोवन दिलां. आयज आमी २१ व्या शेंकड्यांत पावली मारूंक फुडें सरताना नवें नेतृत्व हें गांवगिरेंच आसूंक जाय म्हणपाचें आमच्या राज्यकर्त्यांक दिसूंक लागलां. अशा वेळार ह्या असल्या साहित्याचें म्हत्व आपशींच दिसूंक लागता. देखून जाता तितल्या अदीक भुरग्यांकडेन हें पुस्तक पावचें हे खातीर प्रयत्न जावंक जाय.

हें पुस्तक जातातितलें सोबीत जावचें हे खातीर जाणीं यत्न केले त्या चित्रीक श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार आनी आनंद मुद्रणालयाचे श्री. जोशी हांचें आमी उपकारी आसां.

प्रियोळ, १–१–१९८८ — उजवाडावपी

मांडावळ

१. शेणिल्ल्या बैलाचो सोद ५
२. पिडेस्ताक वैजाची गरज २७
३. पर्तोलाच्या दोंगराचें गुपीत ३८
४. गांवांत मनूच्यो बकच्छायो ४५
५. बेबद्याचें संवंग ५४
६. भुतांखणींत भुतांचो खेळ ६४
७. उदकांतलें धाडस ७३
८. गांवांत मनूचो भौमान ७९

: १ :

शेणिल्ल्या बैलाचो सोद

मनू शाळेंतल्यान घरा आयलो. पुस्तकांचो बोटवो ताणें खुंटयेक लायलो. हात पांय धुवन रांदचेकुडींत भितर सल्लो आनी पाटार जेवंक बसलो. आवय बेगीबेगीन वाडपाक आयली.

" सवकास जेव. " आवयन ताका वाडटना म्हळें. मनूक ताक-तिकेन जेवपाची संवंय आसली.

" मधू तुका सोदपाक आयिल्लो. "

" कित्याक ? " मनून उदक पीत विचाल्लें.

" जेवन जातकच तुका किरामळार खेळपाक आपयला. "

" म्हाका आज वेळ ना. "

" कसलें काम आसा ? "

" अभ्यास करूंक जाय. "

आवयक हांसपाक आयलें.

" कित्याक हांसता ? " गंपून विचाल्लें.

" तूं अभ्यास करतलो ? अभ्यास सोडून बाकीचे सगळे उद्येग करपाचे तुवें. "

आवय कुशीक सल्ली. मनूक मातशें वायट दिसलें. ह्या दिसांनी आपूण सारको अभ्यासाक बसना हें खरें. अेकली आवय जोडून म्हाका पोसता. तिका वायट दिसपाचेंच.

तो आंचवलो आनी हात पुशीत बांकार बसलो. मात लेगीत वगत वगडायनासतना आतां अभ्यास करप. ताणें खुंटयेवयलो बोटवो काडलो.

" जाणां मनू ? " आवयन ताका अुलो माल्लो.

" हांव शिकतां गे– " मनून बोटवो अुकतो करीत म्हळें. शाळेंत शिकयिल्लो पाठ ताणें वाचपाक अुकतो केलो.

" त्या रघूलो चानो आजून मेळूंक ना. " आवयन सांगलें.

" केन्ना शेणला तर ? " मनून पाठावयली नदर काडीत विचाल्लें.

" आज पंदरा दीस जाले." आवयन सांगलें आनी अेक सुस्कार सोडलो.

आतां मनूक समजलें. रघूलो चानो बैल सांडला म्हण तर रघू ह्या दिसांनीं शाळेंत येना. आपणें ताची चवकशी केली ना. तो हरशीं आपलो एक इश्ट, तेभायर एकाच वर्गातले.

ताणें पुस्तक काडून बोटव्यांत दवल्लें. पायांत व्हाणो चडयल्यो.

" खंय वता रे ? " आवयन भायर येत विचाल्लें.

" रघूगेर वचून येतां. " मनू सोपणां देंवलो.

" अभ्यास करतां म्हण सांग न्हय रे ? " आवयन म्हळें.

" मागीर करतलों. "

" सद्दां तुजें अशेंच. " आवय तोंड वांकडें करीत भितर गेली. मनू तसोच चलत रावलो. पायणींत देंवलो आनी रघूगेर वचपाक लागलो. चलतांचलतां वाटेरूच ताका मुखावयल्यान रघू आनी ताचो बापूय येता ते दिश्टी पडले. तो थंयच थाल्लो. ते लागीं पावले तसो मनून रघूच्या खांदार हात वडयलो आनी तोवूय तांचेवांगडा चलपाक लागलो. रघूचें तोंड आदींच पडिल्लें. मनू

दिसनाफुडें तो रडच्या दुकार पावलो.

" आजून मेळूना तर चानो ? " मनून रघूक विचाल्लें.

" ना. सगळ्याक सोदलो. दोंगरार, गांवांत. शेजारच्या गांवांत पासून वासपूस केली. " रघून नाख पुशीत सांगलें.

" दोणयांच्या दोंगरार सोदलो ?" मनून उमळशिकेन विचाल्लें.

" सगळो दोंगर सोदून जाता ? दुबावाच्यो सगळ्यो सुवाती सोदल्यो. " रघूचे जापेर मनू वगीच रावलो. ताणें मान वयर करून दोणयांच्या दोंगरार नदर माल्ली.

" मेळटलो. " इतलो वगत वगी आशिल्लो रघूलो बापूय आत्म-विस्वासान उलयलो.

" कसो ? " मनून विचाल्लें.

" म्हजे वांगडा येयात. " रघूलो बापूय झपाझप पावलां वडयत चलत रावलो.

" खंय ? " मनून रघूक विचाल्लें.

" आमी नारायण घाडयागेर वतां. " रघून सांगलें.

नारायण घाडी गांवचे एके बगलेक रावतालो. कसल्याय देव-स्पणांक लोक तागेर वताले. तो पाटार बसून आसो काडटालो आनी तरांतरांचे उपाय सांगतालो. गांवांतलेच न्हय तर गांवा-भायले लेगीत लोक तागेर येताले. तो सांगता तें खरें उतरता अशें कांय जाण सांगताले तर कांय जाण तो कायचे काय सांगून गरि-बांक नाडटा अशें उलयताले. तेचखातीर त्या घाडयाअस्वडीं लोक ताका नाडंग नारायण म्हणटाले.

" घाडी कसले उपाय करतलो ? " मनून आपणालो दुबाव रघूक विचाल्लो.

" म्हाकाय खबर ना. "

ते दोगूय मोन्यांनी रघूच्या बापायफाटल्यान चलपाक लागले. अर्देवराची वाट सोंपतकच नाडंग नारायणालें घर आयलें. घर म्हळचार खोंप कशी. खोंपी भोंवतणयां वंय केल्ली आनी भितर तरांतरांची फुलझाडां आनी फळझाडां लायिल्लीं.

वंयेचो आंकाडो हुपून ते तिगूय भितर सल्ले. घाडी खुदतालो.

वणटीक तेंकून नारायण घाडी बशिल्लो. ताचेमुखार पाट आशिल्लो. पाटार सुरय तांदूळ दवरिल्ले. कोर्दीच्या बावल्यासारकी घाडी जलद गतीन तकली हालयतालो. तोंडान कितें कितें म्हणटालो आनी पाटार हात घालून चिमटी मारून तांदूळ कुशीक काडटालो. ताचेमुखार धाएक लोक बशिल्ले. तांच्या तोंडार हुसको फांकिल्लो. भितर बशिल्ल्या सगळ्यांचीच तोंडां तशीं जाल्लीं. घाडी तांकां कितें कितें करचें तें सांगतालो. कोणें देवाक कोंबो मारूंक जाय, कोणें बोकडो कापूंक जाय, कोणें स्राद्ध वाडूंक जाय, अश्यो

जायत्यो गजाली. एकलो एकलो आपणालें काम जाता तसो उठपाक लागलो. आनी उठटना घाडयाच्या पाटापोंदा हात घालून कितें दवरपाक लागलो.

मनून नदर बारीक करून पळयलें, दर एकलो पयशांच्यो नोटी घाडयाच्या पाटासकल धोंगशितालो.

"बाळक, कितें जालां ?" घाडयान रघूल्या बापायक विचाल्लें.

रघूल्या बापायन घाडयाच्या पाटामुखार साश्टांग नमस्कार घालो आनी चानो पाडो शेणिल्ल्याची खबर घाडयाच्या कानार घाली. आनी निमाणें ताका विनयलें.

"चानो मेळसारकें कर."

"इतले दीस कित्याक आयलो ना ?" घाडयान दोळे तांबडे करीत विचाल्लें.

"पाडो येत येत म्हण रावलों." रघूल्या बापायन गुन्यांवकार जावन म्हळें.

घाडयान तकली हालयली. तो खुदपाक लागलो. तकली हालता तशी ताच्या माथ्यावयली शेंडी सोरपाभशेन वळवळूंक लागली.

"पाडो मेळटलो." चिमटेन कुशीक काडिल्ले तांदूळ मेजीत घाडयान सांगलें. तेसरशीं तिगांयच्या तोंडार उमेद फांकली.

"घातपात जावंक ना मू ?" रघूच्या बापायन विचाल्लें.

घाडयान परते चिमटेन आशे काडले. "ना. तण चरोव खावन घटमूट आसा."

रघूलो बापूय चड धादोसलो. "खंय आसा चानो ?" ताणे विचाल्लें.

"उदेंतेक आसा अशें म्हाका देव सांगता." घाडयान सांगलें.

"सोदचो पडटलो ?" रघूच्या बापायन विचाल्लें.

“ गरज ना. आपशीं दाव्यार येतलो.” घाडयान सांगलें.

“ पुण उदेंतेकडेन कसो आसतलो ?” मनून मदींच दुबावान विचाल्लें. ते बराबर घाडयान अजापान वयर पळयलें. ताणे मनूचेर नदर थीर केली. रघू भिलो.

“ उदेंतेकडेन नासपाक कितें जालां ?” घाडयान ताचेवयली नदर थीर करीत म्हळें.

“ उदेंतेक तर न्हंय आसा.” मनून भियेनासतना म्हळें.

“ न्हंय आसल्यार कितें जालें ? देवाच्या मनांत आसल्यार न्हंयेच्या पोटांत लेगीत बैलाक दवरूं येता.” घाडयान मनूक पिशांत काडीत सांगलें.

मनूचें समाधान जालें ना. रघूचो बापूय मात सुमाराभायर धादोसलो. ताणें एक नोटीची कवळी घाडयाच्या पाटापोंदा रिगयली. ते तिगूय उठले आनी भायर सरून वाटेक लागले. जायती वाट ताणीं माड्डिली पुण कोणूच कांय उलयलो ना.

रघूचो बापूय खुबूच मुखार गेलो. मनून रघूक म्हळें, “ म्हाका ह्या नाडंग नारायणाचें सारकें लागना.”

“ कित्याक ? ”

“ उदेंतेकडेन चानो आसतलोच कसो ?”

“ हय, म्हाकाय तोच दुबाव येता. न्हंये मेरेन सगळो वांठार आमी भोंवून पळयला.” रघून सांगलें.

“ तुगेलो चानो न्हंय हुपून वचत अशें तुका दिसता ?”

“ ना रे, तो उदकाक भिता. उदकांत न्हाणोवपाक लेगीत दिना. ”

“ मागीर तो उदेंतेकडेन आसप शक्यूच ना. उदकांत आसतलो खंय !”

मनूक नाडंग नारायण घाडयाचो राग आयलो.

"तुगेल्या चान्याक एकमुळो भोंवपाची संवय आसा न्हय ?" मनून चिंतीत विचाल्लें.

"हय. हरशीं म्हण तो बाकीच्या गोरवांच्या चोम्यांत चडसो रावना. तांचेपासून पयस वता. पूण खंयूय गेल्यार आमोरेर दांव्यार परततालो. त्या दिसा दोंगरार घातलेलीं गोरवां परत आयलीं. पूण.... "

मनू मोन्यानी चिंतपाक लागलो.

"चानो खंयतरी अडचणेंत सांपडला जातलो." मनून म्हळें.

"पूण घाडी सांगता–"

"त्या नाडंग नारायणाचेर भरवंसून जावंचेंना."

"मागीर कितें करुंया ?" रघून बाबडो जावन विचाल्लें.

"आमी चान्याक सोदुंया."

"खंय सोदुंया ?"

"दोणयांच्या दोंगरार. जंय सोदूं ना थंय सोदुंया."

"पूण दोणयांचो दोंगर अस्तंतेक पडटा. घाडयान सांगलां उदेंतेक–"

"तुकां सांगलें न्हय त्या नाडंग नारायणाचेर भरवंसप नाका."

"बरें, केन्ना या ?"

"फाल्यां. सक्काळीं भायर सरुंया." मनून चिमटी वाजयत म्हळें.

"पूण घाडयान सांगलां म्हणटकूच–" रघू चांचल्लो.

"तुजो बापूय धाडचोना म्हणटा मरे ?"

"हय."

"म्हजी आवय तरी म्हाका खंय धाडटली ?"

“ आनी फाल्यां शाळा आसा. ” रघून अडचण सांगली.

“ शाळा चुकोवचीच पडटली. अशें करचें–” [illegible]

दोगूय चलतां चलतां थाल्ले. मनून म्हळें, “ फाल्यां सकाळीं शाळेंत म्हण वचपाक भायर सरुंया आनी बद्द दोणयांच्या दोंगरार कूस मारुंया. ”

“ पूण–”

“ तुगेलें पूण मागीर. आतां घरा वचून फाल्यांचो अभ्यास पुराय करुंया.”

दोगूय झपाझप पावलां वडयत आपापल्या घरा आयले.

तिनसांज जाली. रघूचो बापूय चानो घरा येत म्हण वाट पळयत पडवेर बशिल्लो पुण चानो आयलोना.

रात जाली. मनूक केदोवेळ न्हीद लागली ना. न्हीद लागली तेन्ना ताका सपनां लेगीत चान्यांचीच पडलीं. आपूण आनी रघू दोणयांच्या दोंगरार चान्याक सोदीत भोंवतात अशें ताका दिसलें. कोंब्यासादार मनूक जाग आयली. तो उठलो आनी दांत घासपाक लागलो.

“ आज बेगीनसो उठलो ?” आवयन ताका विचाल्लें. हरशीं आवय मनूक उठयताली.

“ ना. आज शाळेंत बेगीन वचपाक जाय.” मनून आवयक फट माल्ली. पूण आवयक खरी खबर कळटकच कितें दिसतलें तें येवजून ताका वायट दिसलें. पूण आतां ते गजालीपरस ताका रघूल्या चान्याचोच हुसको चड लागिल्लो.

“ हांव वतां. ” खांदाक बोटवो लावन मनू भायर सल्लो. आंगणांतल्यान भायर सरतना मुखावयल्यान रघू येता तो ताका दिश्टी पडलो. रघू चोरपावलांनी कांचवेत कांचवेत येतालो.

“ दनपार मेरेन पावतले मरे ?” रघून विचाल्लें.

“ ते खातीर तर इतले सकाळीं भायर सल्ल्यात. तुजो बापूय कितें म्हणटालो ?”

“ हांवें ताका सांगलां शाळेंत वतां म्हण. वच म्हणपाक लागलो. चानो आतां आपशींच घरा येतलो. घाडयाचेर विस्वास आसा ताचो.”

“ आनीक नोटींचे कवळे पाटापोंदा रिगय म्हणचे. नाडंग नारायण !”

दोगूय हांसले. शाळेचे वाटेक लागले. सदचेवरी तांणी वाटे-वयल्या इश्टांक हटकिलें ना. जायतें चलून वतकच ते मदींच थाल्ले. वाटेचे फुडेंफाटीं तांणी नदर भोंवडायली. खंयच तांचेबगर एक जितो मूस नासलो. दोगांयनी हातांत हात घेतले आनी दोणयांच्या दोंगरावशीन धांव माल्ली. दोंगरार वचपाक एक मळिल्ली वाट आसली. ते वाटेन दोंगरार गोरवां येतालीं वतालीं. ते दोगूय आडवाटेन गेले. वाटेर कोणूय राखणे तांकां पळयत म्हण भिरांत आसली.

दोंगराच्या मुळसांतल्यान वयर चडटना सुर्या उदेतालो. एका दमान तांणी एक चडण काडलें. ते मातशे थाल्ले. सकाळच्या पारार लेगीत तांकां हूम आयली.

“ आरे, हे पुस्तकांचे बोटवे अशेंच व्हरुंया ?” रघून खांदावयलो बोटवो उबारीत म्हळें.

“ आरे, हय मरे, हाड. ” मनून रघूचो बोटवो घेतलो आनी दोनूय बोटवे घेवन ताणें कुशीच्या झाडार पावल दवल्लें.

“ कितें करता रे ?” रघून विचाल्लें.

“ बोटवे हांगासर झाडाचेर हुमकळावन दवरुंया. मागीर

येतना व्हरुंया."

मनून एके खांदयेक दोनूय बोटवे हुमकळायले.

" बरे लांबतात. " रघून हांसत म्हळें. मनू देंवलो तशें दोगूय परते दोंगर चडपाक लागले.

आडवाटेंतल्यान वतना तांकां पांय सांबाळून घालचो पडटालो. कांटे कुशीक करून चलचें पडटालें.

" सामके दोंगरा तेंगशेर या. " मनून सांगलें.

मनूगेर गोरवां नासलीं पुण वाड्यावयल्या हेर गोरवांराखण्यां वांगडा तो केन्नाय दोंगरार येतालो.

" आवयस् ! "

" कितें जालें रे ? " ओणव घातलेल्या रघूक मनून विचाल्लें.

" काण्णीचो कांटो तोंपलो. "

" हय मरे. रगत आयलें. " मनून कुशीचे हुस्केच्यो चार कोंबऱ्यो किस्मुरल्यो आनी घायाक चोळ्ळच्यो.

" हें वखद बरें. "

दोगूय परते चलपाक लागले. सुर्या बरोच वयर आयिल्लो. वोत खर जायत वतालें. दोंगरा तेमयेर पावपाक आनीक इल्लें अंतर उरिल्लें.

" मनू, एक मजा दाखयतां. "

" कसली ? "

मनून थारून फाटीं वळून पळयलें. रघून एक वांटकुळोच व्हडबरो फातर उबाल्लो आनी चक्र कसो घुंवडावन सकल सोडून दिलो. जलद गतीन फातर देंगणावयल्यान शेंवटून गेलो आनी सकयले एके झिलींत घस्स करून आदळ्ळो. तेसरशीं झिलींतलीं दोन सुकण्यापोरां चिवचिंव करून जीव सांवरीत उडून गेलीं. रघू

मनापासून हांसलो आनी पायाचे जाळ विसल्लो.

" हें बरें न्हय. " मनून म्हळें.

" कित्याक ? "

" सकल कोणालीं गोरवां पाडकां आसल्यार मोडून काबार जावपाचीं. "

आनी तेसरशीं रघूक चान्याचो उगडास आयलो. " पळय, दोंगरा तेमयेर पावले." रघून म्हळें.

दोगूय दोंगराचे तेंगशेर बसले आनी तांणी विसव घेतलो. वयरसून सकयलो गांव दिसतालो. घरां बारीक ठिबक्यासारकीं दिसतालीं. शेतांत वावुरता तीं मनशां मुयांभशेन दिसतालीं.

" आतां चान्याक सोदपाच्या वावराक लागुंया. " मनून उठत म्हळें.

" हे तेमये पर्यान ताका सोदून जाला."

" हो दोंगराचो एक वांटो जालो. आतां दुसऱ्या वांट्यांत सोदुंया. हे वशीन."

मनून दोंगराचे दुसरे वशीन बोट दाखयलें. रघून तेवटेन पळयलें आनी ताच्या काळजांत धस्स जालें. दोंगराची ती वट व्हडल्या व्हडल्या रुखांनी भरिल्ली. ताचेमुखार दुसरो दोंगर आसलो. दोन दोंगरां मदली दोण झाडापेडांनी भरिल्ली.

" हे दोणीखातिरूच ह्या दोंगराक दोणयांचो दोंगर म्हणटा आसतले." मनून म्हळें.

रघूक मनूच्या गिन्यानाची तोखणाय दिसली.

" पूण हे दोणींत चानो कित्याक वतलो ?" रघूक प्रस्न पडलो.

" पाडो तो. मुखावयलें पांचवेंरान पळोवन गेला आसतलो" मनून जाप दिली.

"आनी तुगेलो चानो एकमुळ्या सभावाचो."

रघूक पटलें आनी दोगूय दोणीवशीन देंवपाक लागले. दोंगर चडटना तांकां हड्डें मुखार काडून खर्शेत चलचें लागिल्लें. आतां

सकल देंवताना तोल सांबाळून पावलां वडोवचीं पडटालीं. मदीं मदीं कांटेय पायांपोंदा मोडटाले. पायांत रिगताले.

"चानो अमकेच वटेन ग़ेला म्हण कशें कळटलें?" रघून विचाल्लें.

"ह्या कुरवांवयल्यान." मनून जमनीक बोट दाखयलें.

जमनीर ह्यन्ह्यशीं गोरवांची गेतां उदेल्लीं. मनू त्या कुरवांचो माग घेत वतालो आनी रघू ताचे फाटल्यान पावलां उबारतालो.

"पूण हीं चान्याचींच गेतां आसतलीं कित्यावेल्यान?"

"तेंच तर कळटलें न्हय." मनून म्हळें. आनी तो नेटान देंगण देंवपाक लागलो. मुखार तांकां अशींच जायतीं गेतां उदेल्लीं दिश्टी पडलीं. एके सुवातीकडेन मनू थाल्लो. ताणे ओणव घालो.

"कितें जालें?" रघून अजापान विचाल्लें.

"शेणाचो थापो." मनून बडयेन थापो उस्तीत म्हळें.

"खूब तेंपाचो आसतलो." रघू निरशेलो. पूण मनू चिंतपाक पडलो. ताणें अदमास केलो. थापो धा पंदरा दिसांआदींचो आसलो. म्हणचे चानो पंदरा दिसांआदीं हांगासल्ल्यान गेला अशें मानपाक हरकत ना.

"रघू, आतां गेतांच्यो कुरवो बारीकसाणेन पळय." मनून रघूक उमेद हाडीत म्हळें. आनी रघूक नवो नेट आयलो. ते परते चलपाक लागले. दोळ्यांआड येवपी वाली कुशीक सारपाक लागले.

"मनू ऽऽ" रघून एक हामेल माल्ली आनी चलतां चलतांच बसकण माल्ली. मनू कांचवेलो आनी थाल्लो. रघू म्हऱ्यांत येत ताणे विचाल्लें.

"कितें जालें रे?"

"पळय." रघून कुशीक बोट दाखयलें. थंय एका गोरवाचीं हाडां अयसपयस पडिल्लीं. रघूच्या दोळयांत दुकां दाटलीं. आपणाल्या चान्याचींच तीं हाडां जातलीं अशें ताका दिसलें. पूण मनू वगी रावलोना. सगळ्या हाडांचेर ताणे नदर भोंवडायली. बोरी, पांय हांचींच हाडां दिसतालीं. तकलेचीं हाडां दिसनाशिल्लीं. तो आनीक मातसो मुखार गेलो. एका फातराच्या आडसाक ताका मेल्ल्या पाड्याचो शिंगासकट खड्डो मेळ्ळो. ताणें तो उबाल्लो आनी रघूक उलो मारीत तो धांवलो.

"रघू, हो तुजो चानो न्हय. ह्या खड्ड्याचीं शिंगां पळय वांकडीं आसात."

आनी रघू रडटा रडटनाच हांसलो. मेला तो आपणालो चानो न्हय हाची ताका खात्री पटली. तो दुकां पुशीत उठलो.

"चल, मुखार सोदुंया."

दोगूय नवे उमेदीन पावलां वडोवपाक लागले.

देंवतां देवतां रघून म्हळें,

"मनू ?"

"कितें ?"

"तुकां भूक लागू ना ?"

"लागल्या."

दोगांकूय सडसडीत भूक लागिल्ली. पूण खावपाक कांयच नासलें.

"आतां दनपार जाली. शाळा सुट्टली."

रघूक प्रस्न पडलो. मनू वगी पडलो. एके वटेन भूक लागिल्ली. दनपार जाल्ली. घरा पावना जाल्यार हुसको जावपाचो. दुसरे वटेन चानो मेळत म्हणपाची आस्त धरताली.

" कितें करुंया रे ? " रघून तोंड बावयत विचाल्लें.

" पयलीं कितें तरी खावपाक जाय. "

मनून हांगाथंय नदर भोंवडायली. आनी धांव मारून तो एका झाडार चडपाक लागलो. तें झाड आवळिणीचें आसलें. कचकचून आंवाळे लागिल्ले. एक खांदी ताणे बागयली आनी रघून सकयलसून ओडली. तेसरशीं ती कुच्च करून मोडून सकल पडली. मनू सकल देंवलो आनी दोगूय भुकेच्या भारान आंबट-तोरट आंवाळे खावंक लागले. मातशी भूक गेल्लेभशेन तांकां दिसलें.

" म्हाका तान लागल्या. " रघून म्हळें.

उदक खंय मेळटलें हो प्रस्न तांकां पडलो. रानांत खंयचे दिकेक कितें आसा ताची तांकां खबर नासली. हें रान तांकां पुराय अनवळखी आसलें.

" उदक मेळटा तेन्ना पिवंया. आतां चान्याक सोदुंया. "

मनून रघूक हाताक धरीत उठयलो. दोगूय परते गेतांच्यो कुरवो सोदूंक लागले. दनपार जावन गेल्ली. सुर्या अस्तेंतेकडेन देंवतालो. दोगांयच्या काळजांत भिरांत आसली. घराकडेन सगळ्याक सोदासोद सुरू जाल्या आसतली. रघू मदीं मदीं आपणालो भंय उकतायतालो पूण मनू मनांतली भिरांत मनांत दवरून ताका धीर दितालो.

" आमी खंय पावल्या ? " मदींच रघून प्रस्न केलो. मनूकूय प्रस्नाची जाप खबर नासली. तो मोन्यानी मुखार चलूंक लागलो. पूण आतां ते घुस्पल्लेभशेन जाले. गेतांच्यो कुरवो मदीं मदीं दसताल्यो. मदीं मदीं दिसनाशिल्लो. कांय वेळार गेतांच्यो कुरवो काय आनीक कसल्यो ह्या दुबावांत ते पडटाले.

" ह्यो कुरवो गेतांच्यो काय– " रघू मदेंच उलोवपाचो थाल्लो.

" गेतांच्यो न्हय जाल्यार कसल्यो ? "

" वागाच्या पावलांच्यो ? " रघून ल्हवू आवाजांत भिरांतीन म्हळें.

मनूय भिलो पूण ताणें धीर सोडलोना.

" हांगा वाग खंयचो ? " ताणें फकाणांवरी व्हेलें.

" आतां कितें करुंया ? कुरवो सोदप कांय जमना. " रघून निरशेत म्हळें. मनू कांय वेळ चिंतपाक पडलो.

" तूं चान्याक उलो मार. " मनून सांगलें. रघून चान्याक उलो माल्ल्यार खंयूय आसल्यार चानो उलो आयकनाफुडें हांबेतालो. रघुकूय ही कल्पना मानवली. ताणें चान्याक उलो मारपाक सुरवात केली.

" चान्या, घे ऽऽ घे. "

दोन चार फावटी ताणें उले माल्ले पूण मागीर ताचो आवाजूच बसलो.

" कितें जालें रे ?" मनून विचाल्लें.

" ताळो पडलो. आनी तान लागली. "

मनू परतो येवजणेंत पडलो. कितें करचें तें ताका कळना जालें. तो चिंतता आसतनाच कसलो तरी आवाज ताच्या कानार पडिल्ले भशेन जालो. ताणें कान अदीक शादूर केले.

" रघू, तुवें कसलो आवाज आयकलो ?"

" कसलो ?"

" हांबेवपाचो ?"

" ना रे. "

मनूक दिसलें, आपणाक भास जाला आसतलो. पूण आनीक मातशान तोच आवाज हय न्हयसो आयलो. आतां रघूकूय तो

आयकूंक आयलो. दोगांयचीं मुखां उजळ्ळीं. दोगूय तान विसल्ले.

" रघू, चानो हांगा खंय तरी आसूंक येता. "

" म्हाकाय तशेंच दिसता. "

" तूं आनीक उलो मार. "

" पूण कसोच जायना रे. " रघून ताळो मुड्डीत म्हळें.

" तो चानोच आसल्यार म्हज्या उल्याक हांबेवचोना. तुज्या वळखिच्याच उल्याक हांबेतलो. "

" पूण हांव कितें करूं ?"

" कसोय फोर्स काडून उलो मार. "

आनी रघून नुथयेन ताळो ओलो करून उलो माल्लो, " चान्यो ऽऽ "

आनी कान शिटूक करून दोगूय चान्याचें हांबेवप आयकूंक रावले. बऱ्या वेळान पयसुल्ल्यान एक हांबेवप तांकां आयकूंक आयलें.

" हाम्मा ऽ ऽ "

रघून उमेदीन उडकी माल्ली. " म्हजो चानोच हांबेलो."

आवाजावशीन दोगूय चलपाक लागले. चलतां चलतां तांकां चान्याच्या गेतांच्यो कुरवोय दिसपाक लागल्यो. तांची आस दुणावली. ते नेटान चलपाक लागले. सुवात सामकीच दैंवतेची आसली. मात तोल गेल्यार कुडिची पोटली सकल कोंसळपाची.

" हांगा पळय. " रघून बोट दाखयत म्हळें. एके सुवातेर गेतां निसल्ल्याच्यो कुरवो आशिल्ल्यो. त्या कुरवांच्या मागान ते मुखार सल्ले. तांच्या आवाजान चानो परतो हांबेलो.

" हाम्मा ऽ ऽ "

" चानो हांगा आसा." रघू झिडपत धांवलो. मनूय तसो गेलो.

एके खळयेंत चानो आसलो. वयल्या देंगणावयरसून तोल वचून तो निसरून खळयेंत पडला म्हणपाचें कळटालें. खळयेच्यो दोनूय कडो देडेक मनीस उंचायेच्यो आसल्यो. वयले वटेन एक व्हडलें खडप आसलें आनी सकले वटेन हात लेगीत रिगचोना इतलीं दाट झाडां आसलीं. चानो ते खळयेंत बंदखणींत दवल्लेवरी सांपडलेलो.

रघून एका झाडाक गोळ मारून खळयेंत घालून घेतलें. आनी ताणें चान्याक मायेन वेंग माल्ली. ते सरशीं चान्यान उमेदीन शेंपडी हालयली,आंग शिरशिरायलें आनी ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं.

मनू

चानो आठसाठो पाडो पूण आतां ताचीं सामकीं हाडां जाल्लीं. ताचो धवो रंग विटकोर जाल्लो आनी खळयेंतले मातयेचीं खतां ताच्या आंगार उदेल्लीं. उब्या शिंगांचेर माती लागिल्ली. चान्यान शिंगांनी खळी उस्तिवपाचो यत्न केल्लो.

"पळय रे मनू, ताच्या पोटांत कांय ना." रघून चान्याच्या रित्या पोटाक हात लायलो आनी खळयेवयर आशिल्ल्या मनूक सांगलें.

चान्यान खळयेचे भोंवतणी आशिल्लीं झोपां चाबडावन तांचीं सामकीं ताडां केल्लीं. जमीन मस्तिल्ली आनी थंयच शेणाचे थापे वडयिल्ले.

रघू चान्याच्या आंगार हात भोंवडायतालो. आनी मनू ताका कसो भायर काडचो तें येवजितालो. मनू कुशीक सल्लो आनी ग़ोरवां खातात तसल्यो कांय धावशी ताणें हुमटून हाडल्यो. खळयेंत वडयत म्हळें, "रघू, ह्यो चान्याक खावपाक दी."

रघून धावशिचीं पानां खुटून चान्याच्या तोंडांत दिलीं. चान्यान भुकेच्या नेटान तीं चाबडायलीं.

"हेका तान लागल्या." रघून चान्याचो ताळो सरडता तें पळोवन म्हळें.

मनू कुशीक सल्लो. ह्या देंगणाच्या सामको मुळांत गेल्यार घडये उदक मेळूं येता असो ताणे अदमास केलो. झिली कुशीक सारीत तो तसोच मुखार गेलो. ताचो अदमास फुकट गेलो ना. झऱ्याचो खळखळ ताणें आयकलो. आनी कांय वेळान तो झऱ्याकडेन पावलो. चकचकीत उदक धव्याकाळश्या फांतुल्ल्यावयल्यान व्हांवतालें.

ताणें उदक घोटलें. जीव थंडशीतळ जालो. उबो रावन ताणें रघूक उलो माल्लो. झिलितल्यान वाट काडीत रघू ताचेसरीं

आयलो. उदक पियेवन तोय धादोसलो.

"उदक गोड लागता."

"आंवाळे खातकच उदक गोड लागता." मनून रघूक सां

"चान्याक उदक कशें व्हरुंया ?" ताणे मनूक विचाल्लें. थंयच्या झाडांचीं वेंतभर लांबायेचीं पानां खुंटलीं. तांचो केलो.

"दोण्यांत उदक उरतलें ?"

"ना. तुजें खोमीस काड."

मनून आपणालेंय खोमीस काडलें. दोगांयलीं खोमसां उद बुडयलीं आनी दोण्यांत दवल्लीं. दोणो घेवन दोगूय खळये आयले. दोगूय खळयेंत देंवले.

"तूं तुज्या हातांचो पोसो कर."

रघून आपणाल्या हातांचो घट्ट पोसो केलो आनी मनू खोमसां सवकास ताच्या पोशांत पिळपाक लागलो. चा अधाशी जावन पोशांतलें उदक चाखलें. तो मातसो उमेदी ज

"आतां हाका भायर काडपाची मांडणी करुंया." मनून आनी तो खळयेभायर आयलो. हांगा थंय सोदून ताणे बरे धारेचे फातर हाडले.

"आमी कोयती हाडिल्ली जाल्यार बरें जावपाचें." म्हळें. "जावं, आदले मनीस असल्याच फातरांनी झाडां कापत एक फातर रघूकडेन दीत ताणें म्हळें.

खळयेचे सकयले वटेनचीं झाडां कापून ते चान्याक करपाच्या वावराक लागले.

तांचे हात सोलपले. रगतूय व्हांवपाक लागलें पूण दोगांयनी पर्वा केली ना. वराभराचो वावर करून

माडयेच्या आकाराचीं दोन तीन झाडां कापून वडोवपाक यस मेळयलें. चान्याक वाट मेकळी जावपाक आनीक दोन झाडां कातरून वडोवपाक जाय आसलीं. पूण तांचे हात सुजिल्ले. भुजां वळिल्लीं, फातरांच्यो धारोय मुणावल्ल्यो.

कांय वेळ दोगूय वगीच रावले. मनून वयर पळयलें. सूर्याचीं किर्णां दिसना आसलीं. सांज जाल्ली आनी रोखडोच काळोख फांकतलो आसलो.

मनून दुसरी मांडणी काडली. दोनूय झाडां दोगांयनी ओडून कुशीक धरपाचीं आनी चान्याक भायर काडपाचो. एक झाड रघून ओडून धल्लें आनी दुसरें मनून.

"चान्या, भायर सर." रघू कुथणत कुथणत आडुलो."

कांय वेळ चान्याक कांयच कळ्ळें ना. ताणें आपणाभोंवतणीच एक भोंवर माल्लो. दोगांयचें बळ सोंपता अशें जालें. चानो भायर सरूंक नासलो.

"चान्या, भायर सर" रघू दांतओंठ किल्लयत आडुलो.

आतां चान्याचे मतींत उजवाड पडलो. ताणें भायर सरपाक पांय उबाल्ले पूण तो वाटेंत शिरकूंक लागलो. दोगांयनी बागयिल्लीं झाडां ताच्या पोटाक तेंकूंक लागलीं. तीं आनीक मातशीं कुशीक सारपाक जाय आसलीं. दोगांकूय आनीक बळ उरूंक नासलें. झाडां हातांतल्यान सुट्टा अशीं जालीं आनी तशें जाल्लें जाल्यार चानो दोनूय झाडांचे मदें घट्ट चेंपून उरतलो आसलो.

रघू खरशत रडपाक पावलो. मनून निमाणें बळ एकठांय केलें आनी रघूक उरिल्लें सुरिल्लें एकठांय करपाक दोळ्यांनी कुरू केली. दोगांयनी वांगडाच कच्चांयच करून झाडां ओडलीं आनी शिरकल्लो चानो उडकी मारून खळ्येर आयलो. पुरो जावन

दोगांयनी गब्ब करून बसकण माल्ली. आनी ते खरस थांबोवपाक लागले.

ओलीं खोमसां तांणी तशींच भुजांर वडयलीं. " चल या. आतां आनीक कळाव नाका. " मनून भुजाक धरून रघूक उठयलो.

" आतां परतें घरा वचप कशें ? रघूक प्रस्न पडलो.

आयिल्ली ती वाट परती सांपडत म्हणपाचो तांकां भरवंसो नासलो आनी आतां काळोख फांकतालो. रघू निरशेलो.

" आतां वाट दाखयतलो चानो. " मनून बळयां धीर हाडीत म्हळें.

" कसो ? "

" मोनजातीक वाटेची वळख बेस बरी उरता. आमी ताचे फाटोफाट या. "

दोगूय चान्याफाटल्यान चलपाक लागले. सगळ्याक काळोख आसलो. पूण काळखांत धवो चानो दिश्टी पडटालो. पायांपोंदची वाट दिसनासली. पावलां फातरांचेर पडटालीं. खळयांनी निसरतालीं तेन्ना ते झिडपताले. झोंपां कुशीक सारपाक हात मुखार करताले तेन्ना हातांचेर कांटयो उदेताल्यो. कांटयांक लागून खोमसां फर्र फर्र करून पिंदतालीं.

कितली वाट चल्ले तांकां कळ्ळेंच ना. अर्दे झेमेंत आशिल्लेभशेन ते चान्याफाटल्यान चलताले.

जायत्या वेळान लोकांचो आवाज तांच्या कानार आयलो. दोगांयनी कान फडकायले. मुखार पळयलें. ते दोंगराच्या मुळसांत पाविल्ले. आनी गांवांतलो लोक चुडयो पेटोवन तांचे सोदीक येतालो.

■ ■ ■

: २ :

पिडेस्ताक वैजाची गरज

सांजेच्या आदेसाक मनू, दिनू आनी चंद्रू किरामळार जायते खेळ्ळे. तांकां आनिकय खेळपाची उमेद आसली. पूण खेळटां खेळटां मदींच चंद्रू बसलो.

"पुरो जालें रे?" मनून धांवतानाच विचाल्लें.

"नजो कशें दिसता."

"बेस्टोच."

"खऱ्यांनीच रे. हांव घरा वतां." आनी चंद्रू घरचे वाटेक लागलो.

मनू आनी दिनू दोगूच उल्ले. ते मातशे खेळ्ळे आनी घरा परतले.

आमोरी जाली. मनू शिकपाक बसलो. इतल्यान दिनू खशौंत खशौंत आयलो.

"कितें जालां रे?" मनून काचाबूल जावन विचाल्लें.

"चंद्रू बरो ना."

"कसो रे? आत्तां आमी खेळ्ळयात न्हय रे?"

"खेळटाना तो मदेंच गेलो ना?"

"हय."

"गेलो तसो हांथरुणार पडलो."

" चल तर, ताचे खबरेक या. "

मनू उठलो. ताणें आवयक उलो मारून आपूण वतां म्हण सांगलें. ते दोगूय काळखांतल्यान चलपाक लागले.

चंद्रूगेर पावले. घरांत बोवाळ आसलो. शेजारीपाजारी जमिल्ले. चंद्रूची आवय रडटाली. गर्दीतल्यान वाट काडीत दोगूय घरांत भितर सल्ले.

चंद्रू हांथरुणार एके कडेन न्हिदिल्लो.

भोंवतणी लोकांचो जोमो आसलो. चंद्रून दोळे धांपिल्ले. ताचें तोंड बाविल्लेवरी जाल्लें. लोकांचे झुंडीन ताचो अदीक घुस्मटमार जातालो.

" लोकांक मातशे कडेक काडूंक जाय. " मनून म्हळें पूण दिनू बगर तें कोणेंच काना मनार घेतलें ना.

" आवयस् ! आंग सामकें खतखतीत जालां " चंद्रूचे आवयन ताच्या कपलार हात दवरीत हुयेल माल्ली. ती परती हुंडकेवपाक लागली.

" आगे, रडून जाता ? आदीं उपाय करूंक नाका ? " एक

जाणटी बायल मुखार आयली.

" आयज खंय गेल्लो हो ? " जाणटेलेन ताचे आवयक विचाल्लें.

" सकाळीं बेस बरो शाळेंत गेला आनीक खंय ?" आवयन जाप दिली.

" आनी किरामळार खेळपाक गेल्लो. " मनून मदींच सांगलें.

" किरामळार मरे ? " जाणटेली दुबावली.

" थंय भिला आसतलो. तो जागो बरो न्हय. " जाणटेलेन दोळ्यांतल्यान भिरांत उकती केली.

" कितें जालां त्या जाग्याक ? हेर जाग्यांसारको तो जागो. " मनून तिका जाप दिली.

" हेर जाग्या सारको जागो ? भुतांची भानगड आसा थंय. नखलामी घडटा. भोगतकूच कळटलें. तुमी सद्दां किरयतात मरे थंय ? " जाणटेलेन मनू आनी दिनूचेर तापय काडली.

ते दोगूय वगीच रावले.

" ताका कसलो उपाय करप ?" मनून विशय बदलीत म्हळें.

" किरामळार पडलेलो बी हो ?" जाणटेलेन दोळे वरशे करून प्रस्न केलो.

मनू विचारांत पडलो. " तशें कोण पडना ? खेळटा थंय पडटाच."

" बसलेलो मात."

" मागीर जालें तर. बसलो पडलो सारकेंच. आगे चंद्रूचे आवय, पोराची दिश्ट काड आनी किरामळावशीन दवर." जाणटेली कुशीक सल्ली.

मनू चंद्रू म्हऱ्यांत बसलो. ताणें ताच्या कपलार हात दवल्लो. खूप जोर आसलो. ताणें उलो माल्लो.

"चंद्रू ?"

चंद्रून जाप दिली ना. तो मात्तूय साबुद्दीर नासलो.

"कुशीक सरात." चंद्रूचो बापूय गर्देंतल्यान वाट काडीत मुखार आयलो. ओणंव घालून बसलो. ताच्या हातांत एक वाटी आसली वाटयेंत झरयिल्लें कसलें तरी वखद आसलें. तें ताणें चंद्रूचे तकलेक सारयलें.

"ह्या वखदान बरो जातलो ?" मनून उमळशिकेन विचाल्लें.

"पळोवया. नाजाल्यार दुसरें करप."

चंद्रूचो बापूय उठलो. कांय वगत गेलो. पूण चंद्रूक मात्तूय गूण आयलोना. आतां तो कायचे काय बडबडूंक लागलो. ताची आवय मोटचामोटचान रडूंक लागली. सगळयांकूच भिरांत दिसली.

एक एकलो मुखार येवन तरांतरांचीं वखदां फर्मावपाक लागलो.

"अमक्या झाडाचीं मुळां झरोवन दियात."

"अमक्या झाडाचीं पानां वांटून दियात."

"अमकें घोळोवन दियात."

"तमकें आंगाक सारयात."

एक आनी दोन न्हय; जमिल्ल्या दरएकल्यान सहजतायेन एक दोन उपाय सुचयले. थोडेजाण आपणालो उपाय कितलो बरो ताचेरूच उलोवपाक लागले.

सगळयांचें म्हणणें आयकताना मनूक भिरांत दिसली.

हे सगळे उपाय सुरू जाल्यार मागीर चंद्रूची धडगत ना.

असल्या गांवठी उपायांनी आनी देवदेवस्पणांनी गांवांतले जायते पिडेस्त जिवाक अंतरल्याच्यो देखी आसल्यो.

मनू दिनूक घेवन भायर आयलो.

"दिनू, हे लोक चंद्रूच्या जिवावांगडा खेळटले."

" म्हाकांय तशेंच दिसता."

" हांचीं देवस्पणां आनी गांवठी वखदां उपकारचीं ना. दोतो-राक हाडपाचें कोणूच उलयना."

" आमी कितें करुंया ? "

" दोतोराक हाडुंया."

" खंयच्या दोतोराक ? "

गांवांत एकूच दोतोर आसलो. तातो वैज म्हण ताका सगळे वळखताले. ताच्या वखदान रोखडो गूण येतालो. पूण लोक आदीं गांवठी उपाय करताले आनी मागीर पिडेस्त मर्णाकिडेन पावतकूच तात्या वैजागेर धांव मारताले.

" तात्या वैजाबगर गांवांत आनीक कोण आसा ? "

" कोण ना."

" मागीर ताकाच हाडुंया."

" पूण येदे रातचो तो येतलो ? ते भायर ताचें जाणटेंपण जालां."

दोगूय येवजणेंत पडले. तातो वैज येना जाल्यार सगळें फुकट वचपाचें.

" पळोवया यत्न करून." मनून धिरान म्हळें.

दोगूय भायर सल्ले. तात्यालें घर गांवच्या सामकें निमाण्या पोंताक आसलें.

" उजवाडाक कितेंय नाका ?" दिनून उगडास केलो. मनू परतो फाटीं सल्लो. गर्दैन गेलो. कोणाकडचो तरी ताणें टॉर्च मातसो मागून घेतलो.

" चल आतां या." मनून म्हळें. पूण ताकाच प्रस्न पडलो. ताणें अदमास केलो, तात्यागेर चलून वचपाक अर्दवर लागतलें.

थंय सावन परतो येता म्हणसर एका वराचो वगत वतलो. ते म्हणसर चंद्रूच्या जिवाक कितेंय बरें वायट जालें जाल्यार....

"आमी सायकलीन गेल्यार कशे ?" मनून थांबत म्हळें.

"बरें जातलें. पूण सायकल कोणाची ?" दोगांकूय प्रस्न पडलो. मनूक दिसलें, आपणालागीं सायकल आशिल्ली जाल्यार कितलें बरें जावपाचें !

"अनंताकडेन सायकल आला. मातशी मागून पळोवया."

दोगूय अनंतागेर गेले. अनंत पयलीं फाटींफुडें जालो. पूण दोतोरागेर वचपाक म्हण कळटकूच ताणें सायकल तांचे सुवादीन केली.

मनून टायरांतलें वारें तपासलें. सायकलीक दिवो नासलो.

"आतां या." मनून म्हळें आनी तो परतो येवजणेंत पडलो.

"कितें येवजिता ?"

"आमचे मदलो कोणूय एकलो गेल्यार कशें ?"

"कित्याक ?"

"एकलो बेगीन पावतलो."

दिनूक कल्पना मानवली. "तशें जाल्यार तूंच वच. हांव हांगाच वाटेर रावतां. तात्या वैजाकडेन म्हजेपरस तूंच बरो उलयतलो."

मनून आनीक कळाव केलो ना. पॅडलाचेर दावो पांय दवरून ताणें सायकल धुकळ्ळी. उजवी दांग घालून सॅलार बसलो. उजव्या हातान टॉर्च धल्लो. पेटयलो. दावो हात गियेर दवल्लो आनी एकासारकीं पॅडलांचेर पॅडलां मारीत तो रावलो. मारग तांबडे मातयेचो आसलो. सगळो खडबडीत जाल्लो. मदीं व्हडलीं फोणकुलां पडिल्लीं. बारीक मोटे फातर सगळ्याक शिंपडल्ले. टॉर्चाच्या

उजवाडान ते सारके दिसताले.

सायकल चलयताना चंद्रूचोच विचार ताचे तकलेंत घोळटालो. गांवठी उपायाचे यादीन ताच्या आंगार शिर्रऽऽ करून कांटो फुलतालो.

एकाच हातान गी धरची पडिल्ल्यान मदीं मदीं ताचो तोल गेल्ले भशेन जातालो. सायकल लकताली पूण आसा तशी मारगार नीट चलताली.

रातचीं सुमार इकरा–बारा वरां जाल्लीं. सगळ्या मारगार गुप्प काळोख आसलो. मातसो टॉर्च पालयल्यार मुखार काळखा बगर आनीक कांयच दिश्टी पडनासलें.

मनू एकासारकी सायकल चलयत आसलो. मदींच दोन हुंदीर मारगार आडवे आयले. टॉर्चाच्या उजवाडान ते दिपकावले आनी जीव घेवन वालेतींत धांवत सुटले. मनू भिल्लेभशेन जालो पूण खिणभरूच.

निमाणें तात्या वैजालें घर आयलें. काळखांत तें एकोडेंच दिसतालें. घरांत खंयच उजवाड नासलो.

मनू सायकलीवयलो देंवलो. सायकल कुशीक उबी करून दवल्ली. दारावशीन टॉर्चाचो उजवाड घालो. उजवाड दिस्त दारांत बशिल्ल्या सुण्याच्या तोंडार पडलो. तेसरशीं सुणो उठलो आनी एकासारको भोंकीत रावलो.

मनू भिलो. सुणो आंगार झुडोन आयल्यार कितें करपाचें ?

कितलो वेळ सुणो भोंकीत रावलो. सुणो थारतलो आनी आपूण उलो मारतलों म्हण मनू वाट पळयत रावलो. पूण सुणो कसोच थाल्लो ना. मनूचो जीव चंद्रूच्या उगडासान वयर सकल जावंक लागलो.

बऱ्याच वेळान तात्याल्या घरांत दिवो पेटलो. मनूच्या काळजांत उमेदिचें किर्ण पेटलें. कांय वगतान भायलें दार उकतें जालें. तात्यान सुण्याक धपकायलो तसो सुणो वगी पडलो.

"कोण थंय ?"

"तात्या, हांव तो मनू." मनून धिरान पावल मुखार घालें.

"कोण मनू ?" जाणटेल्या तात्यान वक्ल सारकें करीत ताका नियाळ्ळो.

"येदे रातिचो कित्याक आयला ?" तात्याचे बायलेन मुखार येत म्हळें.

"चंद्रू खूब बरो ना."

मनून चंद्रूच्या बापायचें नांव सांगलें.

"कितें जाता ?"

"खूब जोर आयला. कसोच काडना."

"कसलो उपाय केला ?"

गांवठी उपाय आनी देवस्पणां." मनून तोंड वांकडें करीत म्हळें.

"तात्या, म्हाका भिरांत दिसता."

"कसली ?"

"त्या नाका आशिल्ल्या गांवठी उपायांनी ते लोक चंद्रूचो जीव घेत. उपकार करून यो."

तातो चिंतपाक पडलो. ताका मनूच्या गिन्यानाची तोखणाय दिसली. पूण तात्याचे बायलेन आडखळ हाडली.

"येदे रातचो कसो येतलो दोतोर ? आनी अितले पयस ?"

मनूची शक्त गळसणलेवरी जाली.

दोतोर येना जाल्यार ! ताच्यान कल्पना लेगीत करूं नजो

जाली.

" चल या. " तात्यान म्हळें आनी तो मुस्तायकी चडोवपाक लागलो.

मनूक सुमाराभायली खोस जाली. ताणें दोतोराचें बॅग हातांत घेतलें.

" सांबाळून. " तात्याचे बायलेन तांकां सांगलें.

" तात्या, सायकलीन या ?" मनून भियेभियेत विचाल्लें.

" सारकी चलोवपाक कळटा मरे ?"

" हय तात्या. "

मनून बॅग फाटल्या ब्रॅकेटाक लायलें. तात्याक मुखावयल्या

दांड्यार बसयलो. आनी सायकलीर चडून पॅडल माल्लें.

"हांव टॉर्च धरतां." तात्यान टॉर्च पेटयत म्हळें.

मनूक दोनूय हातांनी गी धरपाक मेळ्ळी. आशिल्लें बळ एकठांय करून तो सायकल चलोवपाक लागलो.

"सवकास. आमी पडल्यार मागीर दुसरो दोतोर हाडचो पडटलो." तात्यान मस्कऱ्यांनी म्हळें.

"तात्या, दिनू बरो जातलो न्हय ?"

"तूं बरोच भिला मरे. भियेवं नाका."

मनूल्या जिवाक बरें दिसलें.

मनून मोटे जतनायेन सायकल चलयली आनी निमाणे ते चंद्रूल्या घराकडेन पावले. दिनू तांची वाट पळयत आसलो.

"चंद्रूचें चड जालां." दिनून कांचवेवन सांगलें. दोगूय दोतोराक घेवन चंद्रूगेर गेले.

येदोळचे परस आतां चड गर्दी आनी अदीक बोवाळ आसलो.

तात्या वैजाक पळयनाफुडें सगळे चपापले. गर्दी विस्कळ जाली. सगळ्यांनी तात्याक वाट करून दिली. तातो आयला तें पळोवन सगळ्यांक अजाप जालें. ताका कोणें हाडलो म्हणपाचें लोकांक कुवाडेंच पडलें.

तातो चंद्रू म्हऱ्यांत बसलो. फाटोफाट मनू आनी दिनू आयले. तांणीं तात्यालें बॅग उकतें करून दिलें. तात्यान स्टेथोस्कोप कानांक लायलो आनी चंद्रूच्या उकत्या आंगा-फाटीर लावन ताका तपासलो. थर्मामिटर चंद्रूच्या खाक्यांत दवरून जोर पळयलो. नाडी तपासली. बॅगांतल्यान एक इंजेक्शन काडून चंद्रूल्या दाव्या हाताक तोंपलें.

सगळ्याक शांतताय पातळिल्ली. सगळ्यांच्यो नदरो दोतोराचेर आनी चंद्रूचेर थिरावल्ल्यो.

हात धुवन तातो कुशीक बसलो. " तात्या, " चंद्रूच्या बापायन उलो माल्लो. तो तात्याक कितेंतरी विचारूंक सोदी पूण ताका उतरां फुटलीं नात.

कांय वेळान चंद्रून दोळे उकते केले. सगळयांच्या तोंडार हांशें उदेलें.

" आतां भियेवपाची गरज ना. " तात्यान आत्मविस्वासान सांगलें.

"आनीक मातसो कळाव केल्यार तुमी पोराक वगडायतले आसले. आयच्या काळांत अर्द गिन्यानान हे कसल्या कसलेय उपाय करप?" तात्यान लोकांक विचाल्लें. मुखार झाडापाल्याच्यो, मुळांच्यो आनी तरातरांच्या गांवठी वखदांच्यो राशी पडिल्ल्यो.

" तात्या, आमकां खंय कळटा ?" चंद्रूचो बापूय चांचल्लो.

" म्हाका आपोवपाकूय कळना ? ह्या पोरान म्हाका हाडिना जाल्यार.... " तात्यान तोखणायेन मनूच्या भुजाक धरीत म्हळें. तेसरशीं सगळचो नदरो मनूचेर थिरावल्यो. तो हुमेन चिप्प भिजिल्लो. ताच्या तोंडार उमेद नाचताली.

■ ■ ■

: ३ :

पर्तेलाच्या दोंगराचें गुपीत

मनू सदचेवरी आमोरेच्या वेळार अभ्यासाक बशिल्लो. मास्तरान तांकां विज्ञानांतलो नवो पाठ वाचून येवपाक सांगिल्लें. तो वाचपांत गुल्ल जाल्लो. शिकपांत ताची तनेरी लागिल्ली.

इतल्यांत भायर पडवेर कलकल जालो. ताची तनेरी भंगली. पडवेर कोणतरी येवन ताचे आवयक कसलीतरी भिरांकूल गजाल सांगताली.

मनू बेगीबेगीन भायर आयलो. वाडचावयलें जायू आनी आबोलें दोगांय बायलां काचाबूल जावन उबीं आसलीं. दोगांय शियान कुडकुडिल्लेवरी थरथरतालीं. जायून कपलाची हूम पालवाक अरसयली आनी घडिल्ले भिरांकूळ गजालिची खबर तें सगळचांक सांगपाक लागलें.

" जाणां मगे मनूचे आवय, आबोलें आनी हांव दोंगरार लाकडां मारूंक गेल्लीं. "

" खंयच्या दोंगरार गो ?" मनूचे आवयन अजापान विचाल्लें.

" पर्तेलाच्या दोंगरार मुगे !"

" आगे बाये ! त्या भुतांच्या दोंगरार वचपाक तुमकां कोणें बुद्द दिली ? आनी लांव–लुतां एक जाता अशे तिनसांजचे कातरीर ? "

जायू सांगपाक लागलें, “ हांव हांगा लाकडां कातरतां आनी आबोलें मातशें पयस. एका उल्याच्या अंतरार. ”

“ मागीर ?”

“ काळोख फांकलो म्हण हांयें लाकडां बेगीबेगीन एकठांय केलीं. कवळी केली. भोरो बांदपाची तजवीज केली आनी पयस आशिल्ल्या आबोल्याक उलो माल्लो, ‘ आबोल्या ऽऽ’ ”

“ मागीर गो किते जालें ?”

“ आबोलें उल्लें दावेवटेन आनी उजवे वटेतल्यान न्हयगे तसोच आवाज येयलो. आबोल्या ऽऽ ”

“ आगे बाये ! ”

“ हांव पयलीं दुबावान पडलें. आबोल्यानूच जाप दिलिशी दिसली म्हाका. परतो उलो माल्लो, ‘ आबोल्या ऽ ऽ ’ तर परतो उजवे वटेतल्यान तसोच आवाज– ‘ आबोल्या ऽऽ ’. तरी हांयें म्हटलें, ‘ आबोल्या, या मुगो, तर परतो आवाज, ‘ आबोल्या या मुगो ’. आतां मात म्हाका शेळी हूम फुटली. मागीर म्हाका येवजलें, आमी पर्तेलाच्या दोंगरा–तळाक आसां. थंय भुतां भेश्टायतात हें हांयें आयकल्लें. हांव सामकें थरथरलें. सगळी शक्त एकठांय करून करून हांव आकांतून आड्डलें, ‘ आबोल्या, मार धांव ’ तेबराबर तसोच आवाज काडीत कोणतरी आमचे फाट-ल्यान धांवत येतासो भासूंक लागलें. आमी दोगांय जीव मुठींत धरून धांवपाक लागलीं. कांटे–कुंटे माड्डिले. फातर-गुण्यां-वयल्यान धडपडलीं. कशेभशेन दोंगरा सकल देवलीं तीं बद्द घरा. ”

जायून धांपेत धांपेत ही खबर सांगली. आतां पडवेर आनी आंगणांत सगळो वाडो एकठावल्लो. दरएकल्याच्या तोंडार चितेची सांवळी फांकलेली. पर्तेलाच्या दोंगरार जायूक आनी आबोल्याक

भुतांनी भेंशटायलीं ही खबर आतां गांवभर जाल्ली. फायच्यान
त्या दोंगरार कोणें वचप ना म्हण सगळे अेकामेकांक शिटकायताले
मनून सगळें तटस्ततायेन आयकलें आनी पळयलें. ताका तसो
भुतांचो भंय दिसतालोच. तो चिंतपाक पडलो.

भुतां पर्तेलाच्या दोंगरार कशीं रावतात काय? ती थंयच
कित्याक रावतात? त्या दोंगराक पर्तेलाचो दोंगर कित्याक
म्हणटात?

अेका फाटोफाट कितलेशेच प्रस्न ताच्या मनांत उप्रासले.

अितल्यान आवयन ताका म्हळें, "आयकलें मरे मनू? तूं आनी
चड मस्तो! शाळेंतल्यान येतना वतना त्या दोंगराचेर नदर लेगीत
मारूंक नाका. आतां दोंगरार कान्नां–चुन्नां लडलडल्यांत. तीं खाव-
पाक वचशी जाल्यार फस्तीक पडटलो. आदींच तुकां सांगून
दवरतां. वगीच त्या दोंगराक पर्तेलाचो दोंगर म्हणना! तो दोंगर
आत्याक पर्तें दिता. भुतांचें ठाण तें."

मनूक आवयकडसून शिटकावणी मेळ्ळी. ते रातीं ताचें लक्ष
शिकपांत रमलें ना. ताच्या मनांत पर्तेलाच्या दोंगराचेच विचार
घोळूंक लागले. त्या चिंतपांतूच तो न्हिदलो. न्हिदेंत ताका एक
सपन पडलें.

पर्तेलाचो आख्खो दोंगर ताणें पायांखाला घातलो पूण खंयच
भुतांचें नांव निशाण ताचे नदरेक पडलेंना. 'पर्तेलाच्या दोंगरार
भुतां नात–भुतां नात' अशें म्हणत नाचत तो घरा आयलो. तेन्ना
ताका जाग आयली. सकाळ जाल्ली.

सदच्चेवरी तो शाळेंत गेलो. चलतां चलतां ताची नदर पर्तेलाच्या
दोंगरार पडली.

दोंगर पाचवोचार जाल्लो. चंवरलेलो. काजींक लागिल्ले हळडुवे-

मनू

तांबडे मुट्टे ताका पयसुल्ल्यान सारके दिसले. चुन्नाचीं कांटयारीं झाडां दिसलीं. काण्णीचीं झोपां दिसलीं. त्या फळांचो सुरबूस घमघम नाखांत रिगिल्लेवरी ताका दिसलें. ताच्या तोंडाक उदक सुटलें. तो निरशेलो.

पर्तेंलाच्या दोंगरार आतां कोणूच पांय दिवचोना. काजींचे मुट्टे झडून वतले. बियो पत्र्यांत सांडटल्यो. चुन्नां वालीक सुकून वतलीं. काण्णां कुसून कुसून झडून वतलीं. कोणाच्या तोंडांत कांयच पडचेंना. कित्याक तर ? दोंगरावयल्या भुतांक लागून. पूण दोंगरार भुतां नात म्हणपाचें म्हाका सपन पडलां. सपनांतल्यो गजाली खऱ्यो आसतात खंय ! तशें जाल्यार दोंगरार भुतां नासुंये. पूण कळटलें कशें ? भुतां नासलीं जाल्यार आवाज कसो येतलो आसलो? परतीं उतरां कोण उलयता ?

चिततां चिततां तो शाळेंत पावलो. वर्गांत वचून आपणाल्या बांकार बसलो. विज्ञानाचो तास सुरू जालो. मास्तर नवो पाठ शिकयतालो.

मनूचें मन थीर नासलें. ताचें अेक मन वर्गांत जाल्यार दुसरें मन पर्तेंलाच्या दोंगरार भोंवर मारतालें. मास्तर शिकयत आसलो.

“ भुरग्यांनो, तुमच्या घराचे वणटीपासून तुमी ५५ फूट अंतरार रावात आनी मोट्यान कितेंय अुलयात. तो तुमचो आवाज तुमकां परतो तस्सो आयकूंक मेळटलो. हाचोच अर्थ—५५ फुटांचेर जर आवाजाक आडखळ जायत जाल्यार त्या आवाजाचें पर्तावण जाता. ”

मास्तराचीं हीं उतरां कानांर पडनाफुडें मनून खोशयेन बांकावयल्यान अुडकी माल्ली.

" कितें जालें ? " मास्तरान रागान विचाल्लें.

" मनून अुडकी माल्ली. " शेजारच्या भुरग्यान सांगलें.

" मनू, अुबो राव. "

मनू अुबो रावलो.

" कितें घडलां ? "

" चूक जाली मास्तर. " मनून मान सकल घालून भोगसुर्ण मागली.

" सदांच चुको जातात. " मास्तरान ताका धपकावन सकल बसयलो.

फुडल्या पाठाचेर मनूचें मातूय लक्ष लागलें ना.

दनपारां शाळा सुटली. मनून बाकिच्या शाळगड्यांचो सांगात सोडलो. कोणाक कळनासताना वाटेंतल्यान कूस माल्ली. दप्तर खाक्यांत मारून तो दनपारच्या कडार पर्तेलाचो दोंगर चडूंक लागलो.

सगळे भुरगे आपापणाल्या घरा पावले. मनू पावलोना म्हण ताचे आवयक हुसको जालो. तिणें ताच्या वांगड्यांकडेन वासपूस केली पूण मनू खंय गेला तें कोणाकूच खबर नासलें. आवयक भिरांत दिसली. अितल्यान एका भुरग्यान सांगलें, " मनूक पर्तेलाच्या दोंगरावशीं वतना पळयिल्लो. "

मनूची आवय सामकी काचाबूल जाली.

दनपारचो कड, वताचो रखरख आनी भुतांचें ठाण अश सुवातेर आपणालो पूत गेला म्हणपाचें येवजून तिका घुंवळ येताशी जाली.

सगळो वाडो खळ्यांत पुंजा जालो. मनूचे कांय अिश्ट ताचे सोदीक वचपाक मुखार सल्ले. तांचे फाटोफाट आख्खो वाडो

ल्हवू ल्हवू पावली मारपाक लागलो.

सगळ्यांच्याच तोंडार चिंता फांकिल्ली. तरी आसताना लोक मनूचे आवयक धीर दिताले. मनू आतां बरेभशेन हाताक गावतलो काय ना हो दुबाव सगळ्यांकूच पडिल्लो.

एकामेकांच्या धिरान लोक दोंगराच्या मुळसांत पावले. सगळ्यांनी हांगा थंय पळयलें.

"तो ऽऽ पळय मनू" अेकल्यान बोट दाखयत सांगलें. सगळ्यांनी ते वटेन पळयलें. मनू अेकेकडेन अुबो आसलो. लोक आडसाक अुबे रावले आनी मनू कितें करता तें चत्रायेन तेळपाक लागले.

आपणांक कोण पळयतात म्हणपाचें भान मनूक नासलें. तो अेक-चित्तान आपणालें काम करतालो.

मनून दप्तरांतल्यान पावत भायर काडली. दोंगराचे अुंचेले कडेपासून ताणें अेक अेक फूट करून मेजलें. मेजून जातकच अेके सुवातेर तो अुबो रावलो. दोंगराचे कडेवटेन तोंड करून ताणें व्हडल्यान आपणाकूच अुलो माल्लो. "मनू ऽऽ"

तेसरशीं तोच आवाज परतो आयलो, "मनू ऽ ऽ"

अशे ताणें खूबदां अुले माल्ले. सगळ्या अुल्यांचे परते आवाज आयले. मागीर ताणें कविता म्हळ्यो. व्हडल्यान हालेटी दिल्यो.

"जयहिंद"

"वंदे मातरम्"

सगळ्या आवाजाचें तशें पर्तावण जालें. मनू थंयच देहभान विसरून नाचूंक लागलो.

लोकांक अजाप जालें. खोसूय जाली. तांचो भंय खंयचे खंय ना जावन गेलो.

"मनू ऽ ऽ" लोकांनी मनूक सादयलो. भयाविरयत ते ताचे म्हऱ्यांत गेले. मनून तांकां परते आवाज काडून दाखयले. विज्ञानाच्या पुस्तकांतलो पाठ काडून तातुंतले आवाजाच्या पर्ता-वणाचे नेम सांगले.

जाणटेले आपणाल्या पिशेपणाचेर लजले. आबोलें आनी जायू तर लजेक म्हारग जालीं. मनूच्या वांगड्यांनी हो सोद आपणाक लावंक कळ्ळोना म्हण मानो सकयल घाल्यो.

मनू चवकस आनी शिटूक म्हण सगळ्यांनी ताची तुस्त केली.

■ ■ ■

: ४ :

गांवांत मनूच्यो बकच्छायो

शाळा सुटली. भुरगे घरचे वाटेक लागले. वाटेंत मनूक साळू मेळ्ळें. साळू ताचे परस एक यत्ता मुखार आसलें.

साळू सदां उमेदी आसतालें. शाळेंतल्यान घरा येतना वांगड-च्यांचीं फकाणां मारतालें. पूण आज ताचें तोंड साप्प पडिल्लें. मनूक अजाप दिसलें. बराबरचीं भुरगीं मुखार पाविल्लीं.

" साळू, " मनून उलो माल्लो. तें आपणाले तनेरेंत आसलें.

उलो आयकून भानार आयलें.

" कित्याक वगी गो ? "

" बेस्टेंच. " साळू रडच्या दुकार पावलें.

" कितें घडलां ? म्हाका सांगचें ना ? "

" सांगतां. फॉर्म भरपाक म्हजेकडेन पयशे नात. "

मनू समजलो. साळू अंदू धावेक पाविल्लें. ही ताची बोर्डाची परिक्षा आसली. परिक्षेचो फॉर्म भरपाक शाळेंत सुरवात जाल्ली.

" सगळ्यांनी फॉर्म भल्ले ? "

" हय. "

निमाणी तारीक केन्ना ? "

" फाल्यां. " साळून दुकां गळयत जाप दिली.

" आरे ! " मनू चुरचुरलो.

" कितले पयशे लागतात ? "

" वीस रुपया. "

" तुजेकडेन ना ? "

" आसले ते आवयच्या वखदां खातीर मोडले. "

साळू आनी ताची आवय अशीं दोगांच जाणां कुटुंबांत आसलीं. मनूचे आवयवरी साळूचीय आवय वावर करून धुवेक पोसताली. मनूक साळूची काकुळट दिसली.

आयज साळूचेर प्रसंग आयला तो फुडल्या वर्सा आपणाचेर आयल्यार ?

" तुवें कितें करपाचें थारायलां ? " मनून विचाल्लें.

" कितें करूं ? म्हाका कोणाच कडेन पयशे मेळपाक ना. आवयच्यान तर हांथरुणावयली उठूं लेगीत नजो. तिका ही गजाल सांगल्यार तिचें दुयेंस अदीक बळावत म्हण भिरांत. " साळून दुकां पुसलीं. मनू चिंतपाक पडलो.

" तुवें म्हाका काल कित्याक सांगलें ना ? "

" तूं खंयचे दितलो आसलो ? "

मनून येवजिलें, " हय, हांव तरी खंयचे दितलो आसलों ? हांव जोडटलों तेन्ना....पूण फाल्यांचें कितें ?"

तीं दोगांय मोन्यानी चलपाक लागलीं.

साळूचें घर आयलें.

" साळू, आयक. "

" कितें ? "

" हांव पयशे मेळोवपाचो यत्न करतां. "

साळूच्या दोळ्यांत परतीं दुकां दाटलीं. ताणें उपकारी मनान मनू कडेन पळयलें. साळूक दिसलें – आपणाक भाव आशिल्लो जाल्यार अशेंच म्हणटलो आसलो.

मनू घरा गेलो. जेवलो आनी रोखडोच भायर सल्लो. ताका दिनू, चंद्रू, रघू, दामू हांची सगळ्यांची भेट घेवपाक जाय आसली. ताणें एक एक करून सगळ्यांक मेळोवन घेतले.

" साळूक फॉर्म भरपाक पयशे जाय. " मनून तांकां सांगलें.

" आमच्यांनी कितें करूंक जाता ? " दिनून आनी चंद्रून निरशेत म्हळें.

" म्हाका अेक कितें यवजलां. "

" कितें तें ? "

" आमी वर्सा वर्सा वाड्यार नरकासुरा खातीर कशे पयशे जमयतात ? "

" पटी काडून. " रघून जाप दिली.

" कांय न्हय करून पंचविशेक रुपया जमतात. " दामून अुगडास करून सांगलें.

" तशी पटी अेकठांय करून साळूखातीर वीस रुपया जमयल्यार ? " मनून आपणाली यवजण सगळ्यां मुखार मांडली.

" शी ! " दामून म्हळें.

" शी कित्याक ? " मनून विचाल्लें.

" ती भीक कशी जातली. "

" हय, म्हाकाय तशेंच दिसता. " चंद्रून सांगलें. दिनून आनी रघूनय ताका तेंको दिलो.

" नरकासुराक मागता तेन्ना भीक न्हय ? " मनून तांकां प्रस्न

केलो.

"कितेंय जांव, नरकासुराक दितात म्हण लोक ह्या कामाक दिवचेनात." रघून सांगलें.

"आनी लोकांकडेन मागपाक लेगीत लज." दामून म्हळें.

मनूक वायट दिसलें. आपणाले अिश्ट आपणाले यवजणेक पालव दितले अशें ताका दिशिल्लें. मनून चिंतलें–

"बऱ्या कामा खातीर आनी अेका गरीब भुरग्या खातीर लोकांकडेन पयशे मागल्यार कसली लज? आनी गांवांत अितलो लोक आसताना अेक भुरगें पयशां खातीर परिक्षेक बसूंक पावना ही लज न्हय?"

ताणें अिश्टांक म्हळें, "हांव लोकांकडेन पयशे मागपाक भोंवतलों." ताचो निश्चेव पळोवन तागेले अिश्ट खिणभर अजापले. मनूक कितें जाप दिवची हे येवजणेंत ते पडले. अेकामेकांची तोंडां पळयत रावले.

"तुमी येतले काय ना तें सांगात." मनून निमाणचें तांकां विचाल्लें.

"म्हाका घराकडेन अुलयतलीं रे!" दिनून न्हयकार दिलो.

"म्हजेरूय तापय काडटली" चंद्रून कूस माल्ली. आनी अशे तरेन सगळ्यांनी आंग माल्लें.

मनक वायट दिसलें. आपले सारके अिश्ट आपूण जोडूंक पावूंना म्हण ताका खंत भोगली.

आतां कितें करप, करप ना तें अेकल्या मनूचेर अुल्लें. फकत तिनसांजचो आदेस बाकी अुरिल्लो. फाल्यां सकाळीं पयशांची वेवस्ता जावपाक जाय आसली. साळू ताच्या अुतरार पातयेवन रावतलें आसलें.

ताणे ताकतीक केली. अेक लांब पेपर घेतलो. वयर साळूचे अडचणीविशीं बरयलें आनी फूल थंय फुलाची पाकळी अशी पटी दिवची अशी मागणी केली.

गांवांत घरांनी आनी गाड्यांचेर, पसऱ्यांचेर पटी जमोवपाक तो भोंवपाक लागलो. वाचूंक येता तांकां तो कागद दितालो. वाचूंक कळना तांकां वाचून दाखयतालो.

एका घरांत एकल्यान म्हळें, "आरे, नरकासुराक अजून कळाव आसा आनी येन्नाचशी पटी ?"

मनू वगी रावलो. दिल्ले पयशे बोल्सांत घालून चलूंक लागलो.

ताचे वांगडा शिकपी भुरगे ताज्यो मस्कऱ्यो करपाक लागले.

"साळू खातीर पयशे जमयता."

"साळूचें आनी ताचें जमलां."

मनूक खिणभर वायट दिसलें आनी त्या भुरग्यांची काकुळटूय दिसली. "तोंड आसा म्हण कितेंय उलयतात."

एका पसरकारान एक रुपया दीत म्हळें, "साळू, खातीर तूं सो भीक मागता ?"

मनूक राग आयलो. ताणें दिल्लो रुपया शेंवटून ताच्या तोंडार मारचो अशें ताका दिसलें. पूण हातांत पडटा तो रुपया वगडावन वयर वाद घालीत बसपाक ताका फुरसत नासली.

मनू वता थंय ताचीं फकाणां आनी बकच्छायो चड जाल्यो. पूण ताणें खंयच कोणाक परती जाप केली ना. ताचे नदरेन कितलीं फकाणां चलता हाचेपरस कितले पयशे जमता हाका चड म्हत्व आसलें.

मनू पटी जमयत भोंवता ही खबर आतां गांवभर वाऱ्याभशेन फांकिल्ली. त्या आदेसाक सगळ्यांच्या तोंडांत तोच एक विशय

घोळटालो.

भोवतेक घरां आनी येणावळिच्यो सुवाती भोंवून जातकच मनू थाल्लो. ताणें कागदार नदर भोंवडावन हिशोब केलो. सगळी पटी अठरा रुपया जाल्ली. कोणें रुपया, कोणें आठ आणे तर कोणें चार आणे अशी पटी दिल्ली. दोन रुपयां खातीर खंय वचप हो प्रस्न ताका पडलो.

आमोरी जायत येताली. ताका सट् करून उगडास आयलो तात्या वैजाचो. तात्यागेर गेल्यार ? पूण तात्यालें घर खुबूच पयस आसलें. वचून येतासर काळोख जातलो आसलो. खिणभर ताचें मन फाटीफुडें जालें पूण निमाणें ताणें वचपाचें थारायलें.

तात्यागेर तो पावलो तेन्ना सामकी आमोरी जाल्ली. पळेना फुडें तातो ताका वळखलो.

"कितें रे मनू ? आज कोण दुयेंत आसा ?" तात्यान हांसत हांसत विचाल्लें.

"ना तात्या. दुयेंत कोण ना."

"मागीर ?"

"दुसऱ्या कामाखातीर आयिल्लों." मनून पटयेचो कागद तात्याकडेन दिलो.

तात्यान तो वाचून बायलेकडेन दिलो. बायलेन म्हळें, "आमोरेचेर पयशे कशे दितले ?"

"दिवपाक कितें जालां ? आमी दुयेंती कडल्यान आमोरेचेर पयशे घेनां ?" तात्यान बायलेक समजायत म्हळें. "असल्या कामाक आदार करुंकूच जाय." तात्यान मेजाच्या खणांत हात घालो आनी पांच रुपयांची नोट मनूच्या हातांत दवल्ली.

मनूक खोस जाली. तात्यान दिल्ले पयशे पळोवन आनी ते

परस तात्यालीं उतरां आयकून. आज गांवभर ताचीं फकाणांच चलिल्लीं. तात्याच्या उतरांनी ताका धीर आयलो.

" तात्या, म्हाका पांच रुपया नाका. फकत दोन रुपया जाय."
तीन रुपया परते करीत मनून म्हळें.

" कित्याक ?"

" वीस रुपयांक फकत दोनूच रुपया उणे पडटात. "

मनू उपकार आठोवन चलत रावलो. तातो दारार रावन तोखणायेन ताका पळोवपाक लागलो.

मनू घरा पावलो तेन्ना रात जाल्ली. घरांत भितर सर जाल्यार आवय काचाबूल जावन बसल्या.

" कितें जालां गे ? " मनून भियेवनूच विचाल्लें.

" तूं खंय गेल्लो ? "

" तात्या वैजाले थंय."

" तुवें आज साळू खातीर पयशे जमयल्या ? "

" हय. "

" खंय ते ? "

" हे कितें म्हजेकडेन आसात ?" मनून बोल्सांत हात घाली
म्हळें.

" भायर लोक कायचे काय उलयताले. "

" कितें ! "

"पयशे अेकठांय करून तूं पळून गेलो म्हणून. तुजेच बराबरचे

" तुका खरें दिसलें ? "

" म्हाका कित्याक खरें दिसतलें ? "

" ते पयशे ताचे ताका व्हरून दी. "

" आतांच दितां. "

मनू तसोच उठलो आनी साळूगेर गेलो. भायर काळोख आसल
भितर चिमणेच्या उजवाडान साळू पुस्तक वाचतालें. कुशी
साळूची आवय न्हिदिल्ली. मनू भितर सरताना ताच्या कान
साळूचे आवयचीं उतरां पडलीं.

" केन्नाच अितली लज जावंक नासली. "

" साळूऽऽ" मनून उलो माल्लो.

" यो बाबा. " साळूची आवय नजो आसताना उठली. " पु
आमी गरीब म्हण आमची लज गांवभर कित्याक काडपाक ज
आसली ? "

मनू कांचवेलो. कितें उलोंवचें तेंच ताका कळ्ळें ना. तो मोन
उल्लो.

"आज कितल्याशाच जाणांनी म्हाका हांगा हांथरुणार पडिल
कडेन येवन सांगलें, मनू तुगेल्या साळू खातीर भीक माग
म्हण. म्हाका मेल्ले परस अदीक जालें. साळूची परिक्षा बुडल्य

कोंताक येताली पूण ही लज वांटचाक नाका आसली."

साळूची आवय ओऽऽओऽऽ करून रडपाक लागली. मनू फातरावरी घट जालो.

"हे पयशे !" वीस रुपया मुखार करीत ताणें म्हळें.

"नाका आमकां ती भीक." साळूचे आवयन ताचो हात रागान धुकल्लो आनी हांथरुणांत तोंड लिपोवन ती परती रडपाक लागली.

मनू उठलो. काळखांतल्यान चलपाक लागलो. घडटा तें ताच्या सोंसपा भायलें आसलें. सांजेचे सगळे प्रसंग येवजिता आसताना ताका रडपाक येताशें जालें.

"मनूऽऽ" काळखांतसून ताका उलो आयलो. तो थाल्लोना.

"मनू ?" साळून धांवत येवन ताचो हात धल्लो.

"मनू, म्हजे आवयन तुकां उलयलो म्हण हांव तुजी क्षमा मागतां."

"गरज ना."

"रागार जांव नाका रे. भावासमान तूं म्हाका." साळू काकुळ-टेक आयलें.

"म्हजे आवयक गिन्यान ना देखून ती अशें उलोवंक पावली. ती जिवाक अदीक त्रास करून घेत म्हण हांवूय वगी रावलें. म्हजीय चूक पोटांत घाल रे मनू. दी ते पयशे. तुजेर भरवंसून राविल्लें हांव. हांव तुज्या सदांच उपकारांत उरतलें."

मनून बोल्सांतले पयशे काळखांतूच साळूच्या हातांत दिले.

ताचें मन ल्हव जालें. घराकडेन पावनाफुडें ताचो जीव थाऱ्यार पडलो.

■ ■ ■

: ५ :

बेबद्याचें संवंग

आमोरेचो काळोख सगल्याक फांकतालो. मुखार पुस्तक अुकतें करून मनू कविता पाठ करतालो. कुशीक आवय सान्नी खातीर व्हीर तासताली. अितल्यान वाड्यार बोवाळ जालो. कांय वेळ आवय–पूत आपापणाल्या वावरांत मन घालून तशींच रावलीं. पूण मागीर बोवाळ अदीक वाडपाक लागलो.

" कोणागेर कसलो बोवाळ ? " मनून आवयक विचाल्लें.

" तुगेल्या दामूगेर आसतलो. " आवयन व्हीर ताशीत म्हळें.

" तांगेर कित्याक ? "

" दामूचो बापूय पियेवन मस्ती करता आसतलो. " आवयन सांगलें आनी ती परती व्हीर तासपाक लागली.

" हांव पळोवन येवं ? "

" बेबद्याक पळोवना केन्ना ? " आवयन न्हयकार दाखयत म्हळें.

" दामूखातीर वतां. " मनून दामूची काकुळट करीत सांगलें.

" चल. पूण बेगीन परतो यो. " आवयचो हयकार मेळनाफुडें मनून पडवेरसावन आंगणांत अुडकी माल्ली. तो धांवतच दामूले थंय पावलो.

दामूलें घर सादेंच आसलें. पडवेर लोकांची गर्दी आसली.

मनू

बायलां दादले मेळून विशेक लोक जमिल्ले. कांय ल्हान भुरगेय आसले. चिरंगटींतल्यान भितर रिगपाचो ते यत्न करताले. तांतूंत कांय दामूचे वर्ग वांगडीय आसले. ते मदीं मदीं एकामेकांक बोटां तेंकोवन मुमुरख्यांनी खीऽखी करून हांसताले. मनू पडवेर पावलो. गर्देंतल्यान वाट काडीत तो दाराकडेन गेलो. भितर दामूचो बापूय आपणाले बायलेक खोंटांनी मारतालो. लोक वयलेदरा ताका आडावपाचो यत्न करताले. ताची बायल हुयेली मारीत हांगाथंय नाचताली आनी ताच्यो खोंटो चुकोवपाचो यत्न करताली. इतले म्हणसर दामू मदीं पडलो आनी रडत रडत बापायक विनोवपाक लागलो. पूण बापायन ताची पर्वा केली ना. ताणे ताका धुकलून कुशीक शेंवटिलो. दामू वचून वणटीक आदळळो.

मनूच्या काळजांत चर्र जालें. ताका दामूची काकुळट दिसली. दामूच्या बापायचो ताका खूब राग आयलो. पूण ताका बुद्द शिकोवप ताच्या हाताभायलें आसलें.

दामूचो बापूय मदीं मदीं सोरो पियेवन घरा येतालो. नसते गजालीखातीर घरांत झगडीं उप्रासतालो. बायल ताका आरत्याक परती जाप करी तेन्ना तो बायलेक येतिंश्ट मारतालो.

दुसऱ्या दिसा सोरो निवळटकूच मात तो थंड जातालो. रातीं कांयच जावंक ना अशे तरेन वावुरतालो.

दामूक मात लजेक म्हारग जातालें. दुसऱ्या दिसा ताच्या वांगडचे भुरगे ताका चाळयताले. 'तुजो बापूय बेबदो' म्हण ताका हिणसायताले. दामू लजेशीम जातालो. चारचवगां वांगडा खेळपाक ताका उणेपण दिसतालें. अशा वेळार ताका मनूचो उगडास येतालो. मनू ताका थातारतालो.

आतांय मनून ताका समजायलो. बाकिच्या लोकांनी दामूच्या बापायक थण्ड केलो. घरांतलें वातावरण निवळ्ळें. जणएकलो आपापणाल्या घरा परतलो.

" तूं आज आमगेर न्हिदपाक यो." मनून दामूच्या भुजांक धरीत म्हळें.

" नाका. फाल्यां येतां." दामून दुकां पुशीत सांगलें.

" ना. आजूच यो. तुकां कितें सांगपाक जाय. सामकें गरजेचें." आनी दामूक घेवन मनू आपणागेर आयलो.

" बरें केलें दामूक हाडलो तो." मनूचे आवयन व्हीर कवळीत म्हळें. " आपलें नाशें आनी जगलोकांचें हांशें." तिणें दामूच्या बापायक लेखून म्हळें.

" केन्ना सुट्टलो तुज्या बापायचो सोरो देवाक खबर." आवयन

तांकां वाडीत म्हळें.

"तूं कितें येवजिता रे ?" आवयन मोन्यानी जेवपी मनूक हडकिलो.

मनू खऱ्यांनीच येवजणेंत पडिल्लो. तो तकलेंत कसली तरी माण्णी करतालो.

जेवन जातकच ते आंगणांत बसले. मनू अेकासारको अुलयत आसलो आनी दामू आयकत राविल्लो. मदीं मदीं कळना थंय दामू प्रस्न विचारतालो आनी मनू ताका जाप दितालो. फाल्यां कितें करपाचें ताची माण्णी तांणी दोन तीन वरां लागून तयार केली. मागीर दोगूय न्हिदपाक गेले. व्हडे रात मेरेन दोगांयच्या दोळ्याक दोळो लागलोना. फांतोडेच्या पाराक तांकां न्हीद लागली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं ते सदचे सारके शाळेंत गेले. शाळेंतूय मनू दामूक कितें कितें समजायत आसलो.

तिनसांज जातकूच दोगूय परते एकठांय जाले.

"पयशे हाडले ?" मनून ताका विचाल्लें.

"हय. पळय पांच रुपया आसात." दामून पांच रुपयाची नोट दाखयत म्हळें.

"खंयचे हाडले ?"

"बापायन खोमीस खुंटयेक लायिल्लें तातुंतले चोरयां हाडले."

"बरें केलें."

"आतां असोच गादयेर वच आनी ह्या पयशांचो बाटलीभर सोरो हाड."

"पूण थंय वळखिचे लोक आसतले." दामून दुबाव अुकतायलो.

"लोकांनी तुकां पळोवंकूच जाय."

दामून पावलां अुखल्लीं. मनू थंयच रावलो. थोड्या वेळान

दामू सोऱ्याची बाटली झेतान हालयत मनू म्हऱ्यांत आयलो.

" तुकां लोकांनी पळयलो मरे ? "

" हय. "

" सोरो कोणाक म्हण विचाल्लें ना ? "

" ना. ते आपशींच समजले. "

" कितें ? "

" सोरो हांव म्हज्या बापायक व्हरतां म्हणून. "

" चल थंय काळखाक वचून हांवें सांगलां तशें कर. "

थोडया वेळान दामू काळखांतल्यान भायर आयलो. ताच्या हातांत तीच बाटली आशिल्ली पूण बाटली सामकीच रिती जाल्ली. दोन-तीन आंगळां इतलोच तातूंत आतां सोरो आशिल्लो.

" तूं कोण रे ? " दामून बेबदड उतरांनी मनूक मोटया आवाजांत प्रस्न केलो.

" हांव मनू मरे ! "

" मनू ? कोण मनू रे ? " दामून आवाज चडयत विचाल्लें.

" तुगेलो इश्ट न्हय हांव ? "

" इश्ट ? " दामू लकलो आनी चलतां चलतां वाटेंतल्यान कुशीक शेंवटलो.

" म्हगेलो इश्ट कोण ना. म्हजो इश्ट हो. " दामून सोऱ्याची बाटली उबारीत म्हळें.

चलतां चलतां ते दोगूय दामूल्या घरालागीं पावले. वाटेंत दामू व्हडाव्हडान उलयत चलतालो. वाडयावयल्या घरांतल्यान लोक भायर येवन कितें जालां काय म्हण पळयताले.

" दामू, तुकां लोक हांसतले. " मनून मान सकल घालीत म्हळें.

" लोक हांसतले ? खंयचे लोक हांसतले ? "

“ गांवांतले. ”

“ गांवांतले लोक हांसतले ? कित्याक ? हांव गांवांत एकलोच सोरो पितां ? ”

दामून आवाज चडयलो आनी आयकतल्या लोकांक चड अजाप जालें. इतले म्हणसर दामून काल पाठ केल्ली कविता सराड्या आवाजान म्हणपाक सुरवात केली. वाड्यावयल्या शिकपी पोरांक अजाप जालें. ते घराभायर येवन आवाज येता तेवटेन धांवपाक लागले.

दोगूय दामूल्या घराकडेन पावले. तांचे फाटोफाट लोकांची झुंडी आसली. दर एकलो कितें घडलां तें जाणून घेवपाक उमळशिकेन आयिल्लो.

‘ ओ ऽऽ आवय. ” आंगणांत पावतकूच दामून आवयक रानांत शेणिल्लेभशेन उलो माल्लो.

आवय कालचो मार निवळायत भितर हांतुणार पडिल्ली. ती तशीच उठून धांवत भायर आयली. यो जाल्यार दामूचो अवतार ! दामूची आवय म्हऱ्यांत आयली तसो लोकूय लागीं आयलो. काल मस्ती केल्लो दामूचो बापूय आज मेंगो जावन वग्गी बशिल्लो. तोवूय उठलो.

दामून आंगणांतूच थपकल माल्ली. ताचे दोळे तांबडे जाल्ले. तोंडांतल्यान बेबद्याभशेन लाळ गळटाली. केंस अस्ताव्यस्त फांफसल्ले. मुस्तायकी चुरिल्ली. आनी सगळ्या आंगाक सोऱ्याचो वास येतालो.

“ दामू पिला. ” गर्देतल्यान एकल्यान म्हळें. दामून तीं उतरां आयकलीं.

“ हय, हांव पिलां. हांवें कित्याक पिवंचें न्हय ? ” दामूक कोणें

परती जाप केली ना. पूण सगळयांक सुमाराभायलें अजाप जालें. दामू इतलो सादो भुरग़ो आनी पिवन अशी मस्ती करता !

"मनू, कितें जालें रे ?" दामूची ती अवतिकाय पळोवन वांगडा आशिल्ल्या मनूक ताचे आवयन विचाल्लें.

"हांव नकळों. वाटेर तो म्हाका मेळ्ळो. पिला म्हण हांव ताचे वांगडा आयलों." मनून आपणाक कांयच खबर ना असो आव हाडीत म्हळें.

"मनू, तूं सोरो कित्याक पिना ?"

"म्हाका आवडना. मनापासून आवडना." मनून जाप दिली.

दामून उरिल्ली बाटली तोंडाकडेन व्हेली. तेसरशीं आवयन हात मारून बाटली कुशीक वडयली.

"आवय, पुताच्या हातांतली बाटली वडयता. घोवाच्या हातांतली कित्याक वडयना ?"

दामूचीं असलीं उतरां आयकून लोकांक अदीक अजाप दिसलें.

"पोरा, तितलें बळगें ना रे म्हजेलागीं." आवयन रडकुऱ्यां येत म्हळें.

"म्हजेय लागीं ना. म्हण हांव हो उपाय करतां." दामून दोळे मुड्डीत म्हळें.

इतल्यांत गर्देंतल्यान वाट काडीत दामूचो बापूय भितर सल्लो. रागान ताचे दोळे रसरसताले. लोकांक दिसलें, आतां दामूची धडगत ना. दामूच्या बापायन ओणव घालून दामूच्या भुजाक धल्लो आनी कच्च करून ताका उबाल्लो. आवयन दामूक घट वेंग माल्ली.

"तूं कितें करून आयला ?" बापायन रागासरशीं विचाल्लें. बापायचो अवतार पळोवन दामूची म्हातारी कांपली. ताची

दांतखिळी बसली. हेवटेंन मनूचेर आकांत आयलो. तो मुखार सल्लो आनी हात लावन ताणें दामूक हालयत म्हळें, " दामू, सारको जा. सारको जा."

आनी भंयान गळसणलेलें दामूचें बळगें परतें आयलें.

" तूं कितें करून आयला रे ? " बापायन परतो तोच प्रस्न विचाल्लो.

" सोरो पियेवन आयलां."

बापायन थापट मारपाक उखल्लेलो हात कोणेंतरी आडायलो.

" सोरो पिवपाक कोणें शिकयलो तुकां ? " बापायन आडडून विचाल्लें.

" तुवें." दामून दोळे तांबडे करीत जाप दिली.

" बापायचे देखीर गेलो. बीं तशें भात." फाटसून कोणेंतरी म्हणिल्लीं उतरां सगळयांच्या कानार पडलीं.

बापायक लज जाली. पूण ताणें दामूक सोडलो ना.

" सोऱ्याक पयशे कोणें दिले तुका ? " बापायन विचाल्लें.

" म्हाका सोऱ्यान चोरपाक शिकयलो."

" कितें ? "

" हय. तुज्या बोलसांतले पांच रुपया चोरून हांव सोरो पिलों."

" कित्याक ?"

" तूं कित्याक पिता ? "

बापायक आनीक लज जाली आनी गर्देतल्यान लोक सुस्कारले. " असल्या बापायक तशेंच फाव."

आंगणांत एक नाटक घडिल्लेभशेन घडटालें आनी दामू बापायन विचाल्लेल्या प्रस्नांक पाठ केल्लेवरी जापो दिताली.

" पळय, कितले लोक तुज्या तोंडांत शेण घालूंक जमल्यात.

पळय, तुजे बरोबरचे."

"हरशीं म्हण ते म्हज्या तोंडांत शेण घालतातच."

"हरशीं कित्याक घालतात ?"

"तूं सोरो पियेवन म्हज़े आवयक आनी म्हाका मारता म्हणून. आनी आयज हे इतलेच लोक! कालच्या नाटकाक हाचेपरस अदीक लोक नासलो ?" दामून बापायचे नदरेक नदर लायत म्हळें.

बापायक मेल्लेपरी जालें. मान वयर करून लोकांक तोंड दाखोवपाक ताका लज दिसली. तो तसोच कुशीक सल्लो आनी घरांत गेलो ताची बायल तशीच ताचे फाटल्यान गेली. ल्हवूच मनूय पडवेर गेलो. दामूचो बापूय भितर कुडींत वचून रडपाक लागलो. बायल म्हऱ्यांत येनाफुडें ताणे म्हळें, "आज म्हजे दोळे उकते जाले. आयच्यान सोरो सोडलो."

बायल खोशयेन हुडकेली.

भायर लोक पातळ जाले. मनून दामूक भुजांक धरून उठयलो. ताच्या खांदार हात घालून ताका चाळोवपाक लागलो.

"दामूचे आवय, हांव दामूक आमगेर व्हरतां. म्हजी आवय निवळायतली ताका."

दामूच्या आवय बापायचो निरोप घेवन मनू दामूक घेवन चलपाक लागलो. वाटेर कोण ना तशें ताणें म्हळें, "मोटो हुशार तूं आं. बेबद्याचें संवंग दिस्तादिस्त केलें."

"तुवें शिकयलें तश्शें केलें."

"शे! हांवें सांगलेलें ताचेपरस बरें केलें. रातच्या जागरणाचे दोळे सारके बेबद्यावरी दिसताले." दामूची फाट थापटीत ताणें म्हळें.

“ हांव समजलों तूं खरेंच पिलो काय म्हण. ”

“ शे ! सोरो फकत आंगार फाफडून बाटली झाडामुळांत रिती केल्ली. ”

“ तुज्या बापायन आतां सासणाचो सोरो सोडलो.”

“ कित्यावयल्यान ? ”

“ हांवें आयकलें. घरांत वचून रडत ताणें तुजे आवयक सांगलें. ”

“ खरेंच ? ”

दामून मनूक घट वेंग माल्ली.

“ तुजेखातीर हें सगळें जावंक पावलें.” दामून उपकाराचे भावनेन म्हळें आनी मनूचो हात घट दामलो. मागीर हांसत हांसत ते घरा गेले.

■ ■ ■

: ६ :

भुतांखणींत भुतांचो खळ

सांजचो आदेस. मनू किरामळावशीन धांवपाक लागलो. धांवतां धांवतां ताचे तकलेंत एक विचार आयलो :

ह्या मळाक किरामळ कित्याक म्हणटात काय ? कोणाकय विचाल्ल्यार कशें ? पूण प्रस्न आयकून कोणय पिशांत काडटलो. आपणेंच अर्थ सोदल्यार ? किरामळ – घडये ह्या मळार भुरगें किरासारके किरयतात देखून ताका किरामळ म्हणटात जावंये.

पोल्यांतल्या पोल्यांत हांसून तो आपणाचेरूच खोशी जालो. किरावरी पांखाटे कशे दोनूय हात हालयत तो मळावशीन धांवपाक लागलो. तोंडान 'कोरें तो' 'कोरें तो' अशीं शिकयल्ल्या किराचीं उतरां म्हणपाक लागलो.

धांवतां धांवतां गाडयेक ब्रेक लागचे तसो तो थाल्लो. वाटेंत ताका दिनू मेळ्ळो. दोगूय मळावशीन धांवपाक लागले.

"आज कसलो खेळ खेळुंया ?" मनून विचाल्लें.

"आज कोण दीस ?"

"आयतार."

"तशें जाल्यार आज भुतांखेळ खेळुंया." दिनून हांसत हांसत म्हळें.

"भुतांखेळ ? ही कसली खेळाची नवी तरा ?"

" नवी कशी ? दर आयतारा भुतांखणींत भुतांखेळ जायना ?"

दिनू फकाणां करता म्हणपाचें मनूक समजलें. पूण भुतांखेळाची गजाल ताचे तकलेंतल्यान गेली ना.

गांवाचे कुशीक एक चिऱ्यांची खण आसली. केन्ना काळा तातूंत चिरे मारताले जावंये. पूण आतां तशीच उकती आसली. खणी भोंवतणयां दाट झिलीझोपां मातलेलीं. पयसुल्ल्यान नदर घालपाकूय भिरांत दिसताली. ते वाटेन कोणूच झळकना आसले. भुरगे तर थर्त भियेताले. ते खणींत भुतां आसात म्हण आवय–बापूय भुरग्यांक भिरांत घालताले. दर आयतारा रातिचो ते खणींत भुतांचो खेळ जाता अशें सगळे उलयताले.

" चल, खेळुंया मरे ? " दिनून विचाल्लें.

मनू तनरेंतल्यान जागो जालो. दोगूय धांवचेल्यांनी खेळपाक लागले. पुरो जालें तशे किरामळार उदारे पडले.

" दिनू, तुवें भुतां पळयल्यां ? "

" ना रे बाबा. "

" तुकां पळयन दिसल्यां ? "

" खंय आसा पळोवपाक ? " दिनून उमळशिकेन विचाल्लें पूण भुतांची भिरांत आसलीच.

" आज भुतांखणींत या. "

" नाका रे बाबा ! "

" कित्याक ? "

" भुतांनी कितेंय केलें जाल्यार ? "

" कितें करतलीं ? " दिनू कडेन सारकी जाप नासली.

" भुतां पळोवपाक तरी मेळटलीं. मजा न्हय ? "

दिनूक भिरांत दिसली खरी पूण भुतां पळोवपाक मेळटलीं

म्हण खोसूय भोगली.

दोगूय उठले आनी घरचे वाटेक लागले.

“आतां अशे भुतांखणी कडेच्यान गेल्यार कशें?” दिनून विचाल्लें.

“खणींत भुतां कित्याक रिगतात तें दिसतलें?” दोगूय खणीवटेन वळ्ळे.

हरशीं ते आडवाटेर कोणएक नासतालो. पूण आतां एकलो एकलो थंय चलताना दिसतालो. तांचे फाटसून येवपी दोग जाण आडो हुपून खणीवटेन वळ्ळे.

“तेवूय भुतां पळोवपाक वता आसतले.” दिनून फकाणां करीत म्हळें. मनून तांचीं तोंडां बारीकसाणेन पळयलीं आनी वळख धल्ली. ते घराकडेन पावले.

“सगळीं न्हिदतकूच या.”

“हांव ल्हवूच घरांतल्यान उठून येतां.” दोगूय फासवले.

मनू घरांत भितर सल्लो. ताची आवय पणसा पानाच्यो खोलयो म्हन्यांत घेवन बशिल्ली. एक एक खोली वेंचून पत्रावळ घडशिताली. मनून तिका आदार दिवपाक सुरवात केली. वावर करतां करतां मनून मुद्दम एक जांबय काडली.

“न्हीद येता रे? चल वाडटां तुकां.”

आवयन मनूक वाडलो. मनू बेगीबेगीन जेवलो आनी हांथरुणार आड पडलो. आवय केन्ना न्हिदतली ताची तो वाट पळयत रावलो.

आवयक दीसभर वावर करून पुरो जाल्लें. तिणें दिवो वाडयलो आनी ती न्हिदली. आवयक मदीं जाग येना हाची मनूक खबर आसली. तो ल्हवपीक पावलांनी उठलो. कलसांव आनी खोमीस ताच्या आंगारूच आसलें. एका बोल्सांत ताणें फस्क आनी दोन

मेणवाती घातल्यो. दुसऱ्या बोल्सांत कोळयांत आसलो तो गरंजेल घातलो.

आवाज करिनासताना दाराचो आडामो ओडलो. भायर सल्लो. ल्हवू दार धांपलें. अचळय आंगणांत देंवलो. आंगणा भायर सरून काळखाक उबो रावलो. ओंठ दोडून ताणें शिळोणी घातली. तेसरशीं मुखावयल्यान शिळोणी आयली. दोगूय एकठांय जाले.

"काळखांतूच वचप रे?" दिनून भियेत विचाल्लें.

"हो उजवाड पुरो."

भळबांत चंद्र नासलो पूण नखेत्रांचो उजवाड धर्तरेर पडटालो.

"गरज पडलीच जाल्यार फस्क आनी वात आसा."

दिनूक धीर आयलो. मनूचे फाटल्यान तो चलपाक लागलो.

गांवांत कांय घरांनी आजून दिवे पेट्टाले. एका घरांतल्यान तांकां आवाज आयलो.

"दर आयतारा रातिचो खंय वता तो?" एक बापूय बायले-कडेन आपणाल्या व्हडल्या पुताची वासपूस करतालो. ते तशेच मुखार गेले. तांगेलो एक वर्गइश्ट नानू, तागेल्या घराकडेन पावले. घरांतल्यान नानूचे आवयचो उगडास आयलो. "हो नानू दर आयतारा रातीकडेन वता खंय?"

मनू येवजणेंत पडलो. ते खणीकडेन पावले.

"व्हदळ कांय जाण खणीकडेन हे वाटेंतल्यान गेल्ले. आमी कशे या?" दिनून विचाल्लें.

"आमी दुसरे वटेच्यान या."

आडो हुपून ते खणी कडेन गेले. झाडांझोपां दाट आशिल्लीं. सगळयाक भिरांकूल शांतताय पातळिल्ली. झाडाच्या पोंदाक सावळी पडून काळोख अदीक दाट दिसतालो.

" चलतां चलतां मदींच खणींत पडले जाल्यार ? "

" ना पडचे. " मनून आत्मविस्वासान सांगलें. एकामेकांच्या हातांत हात घालून ते सवकासायेन पावलां वडोवपाक लागले.

" भुतां आंगार धावून आयल्यार ? "

" तीं खेळांत गुल्ल आसतलीं. आनी आयलींच जाल्यार उपाय आसा. "

" कसलो ? "

" म्हजेकडेन गरंजेल आसा. पेटोवन भुतांच्या आंगार शेंवटुंया."

आतां दिनूक धीर आनी नेट आयलो.

" गरंजेलान भुतां मरतलीं रे ? "

" भुतां मरनात दिसता ! "

" मागीर ? "

" पळून नाच्च जातलीं. "

" भुतांचे पांय खंय पर्ते आसतात ! "

" आतां पळोवंया कशे आसतात ते. "

ते सामके खणीवयर पावले. एका कोनशाक झाडाच्या आडसाक उबे रावले. ताणीं मान बागोवन खणींत पळयलें. खिणांत तांचें आंग शिर्र जालें.

एका कोनशाक उजवाड पडिल्लो आनी त्या उजवाडा भोंवतणी धा-पंदरा भुतां एकठांय जाल्लीं. दिनून दोळे गच्च धांपले आनी मनूक घट वेंग माल्ली. तो किळांच मारपाचो इतल्यान मनून ताच्या तोंडार हात घल्लो. ताचो आवाज भितल्ले भितर जिरलो.

मनून चत्रायेन पळयलें. ताका हांसपाक आयलें. " दिनू, पापय दोळे उकते कर. "

" भुतां गेलीं ?"

" पळय, हीं आमच्या गांवचीं भुतां. "

दोगूय दोळे ताणून पळोवपाक लागले. धा-पंदरा लोक दोन तीन वाती पेटोवन भोंवतणी जमिल्ले.

" तो ऽऽ नानू मरे. " मनू ताका दिस्त वळखलो.

" ते दोग जाण आमोरेर दिश्टी पडिल्ले ते. "

" आनी ते आमच्या वाड्या वयले. "

" हे हांगा कितें करतात ?"

" पळय, तांच्या हातांत इस्पिकांचीं पानां आसात. " मनून सांगलें.

" ते पयशे लावन इस्पिकांनी खेळटात."

" हांगा रातचे कित्याक ?"

" दिसाचे कशे खेळटले ? दुडवांनी खेळ्ळयार पुलीस धरून व्हरचेनात ?" मनून ताका समजावणी दिली.

दोगांकूय त्या जुगाड्ड्यांचो राग आयलो. ह्या खेळाचें व्यसन वायट म्हण ताणीं आयकल्लें. ह्या खेळाक लागून सामके गरीब-दशेक पाविल्ले कांय मनीस तांच्या गांवांत आसले.

" हांकां बुद्द शिकोवपाक जाय. " दिनून दांत-ओंठ किल्लीत रागान म्हळें.

" तो पळय नानू, घरा आवय हुसकेता आनी हो हांगा खेळटा."

" शाळेंत शिकता आनी– "

" फाल्यां विचारुंया. "

" नाका वचूं त्या नावाडग्याचे वाटेक. हांकां उगडास उरता अशी माण्णी करूं या. "

" सांग, कितें करूं या ?"

दिनूक उमळशीक लागली. मनून बोल्सांत हात घातलो. गरंजेल भायर काडलो.

" हय वय ! " दिनून उमेदीन उडी माल्ली.

" शूत ऽ वगी. "

" भुतांखण आनी भुतांखेळ खंय ! "

" कळ्ळीं ना आतां कसलीं भुतां तीं ? "

दोगूय सारके उबे रावले. गरंजेल वडोवपाक कितली वड जाय ताचो मनून अदमास केलो. मनून फस्क दिनूकडेन दिलें.

" मार काडी. "

दिनून काडी माल्ली. पयली फुकट गेली. दिनूचो हात थरथरतालो. दुसरी काडी पेटली. दिनू स्वास कोंडून पेट्टी काडी मुखार धरून रावलो. मनून उजवो पांय मुखार दवल्लो. स्वास दामून धल्लो. गरंजेलाची वात पेटयली. आनी तीर धरून खणींत



लोकांच्या चोम्यांत गरंजेल मोखून माल्लो. गरंजेल ‘ सुर्रं ’ ‘ सुर्रं ’ जायत रावलो आनी दिस्त चोम्याचे मदीं पडनाफुडें ‘ ढा ऽऽ ’ करून फुटलो.

तेसरशीं वाती वाडावल्यो. सगळे काचाबूल जावन फांसवले. मेळत तशे धांवत सुटले. कितें जालें म्हणटा तें कोणाचेच मतींत आयलेंना. काळखांत कोण आदळ्ळे, झिडपले. कोणाचे हात-पांय धाडावले. एकामेकांक तकल्यो आदळ्ळ्यो. पांयांत पांय घुस्पून शेंवटले. झिलींत शिरकले.

गरजेलाचो फार जायनाफुडें मनून आनी दिनून काळखांतल्यान मागीर धांव माल्ली. दोगूय परते घरावशीन धांवपाक लागले. खर्शेत खर्शेत तांणी एक फावट घर लागीं केलें.

“ आतां फाल्यां मेळुंया. कोणाक कांय म्हणप ना.” मनून ताका शिटकायलो. मनू घरांत आयलो. करकरय नासताना ताणें दार धुकल्लें. आशिल्लो तसो आडामो ओडलो आनी कांय वेळान सुस्त न्हिदलो.

“ आरे, मनू ऊठ.” सकाळीं आवयन मनूक उठयलो. “ गांवांत बोवाळ पडला. ”

“ कसलो गे ?” दोळे चोळीत ताणें विचाल्लें.

“ आरे, रातीं भुतांखणींत खंय मजा जाली. ”

“ कसली गे ?” मनून अजापान विचाल्लें.

गांवांतले कांय नावाडगे आनी जुगाड्डे दुडवांनी खेळटाले. ”

“ मागीर ?”

“ कसलो फार जालो खंय खणींत. मागीर कितें, मेळत तशे जीव घेवन धांवत सुटले. कोणाचीं धोंपरां फुटल्यांत. पांय तिरपल्यात. हात सल्पल्यात. खोमसां पिंदल्यांत. व्हाणो शेणल्यात. ”

“ मजाच तर. ”

“ कर्माची मजा ! खणींत शेण खावंक वचपी त्या जुगाड्ड्यांक अशीच ख्यास्त भोगूंक फाव. सगळो गांव अशेंच उलयता. ”

मनून मोन्यानी आयकून घेतलें आनी रातच्या उगडासान तो मुमुरख्यांनीच हांसपाक लागलो.

■ ■ ■

: ७ :

उदकांतलें धाडस

दीस पावसाचे आसले. पावस शिरंधारांनी रकतालो. सेगीत आठ दीस पावस झडत आसलो. पडटचा पावसांत चडशे लोक घरांभायर सरनासले. सामकीं गरजेचीं शेता–भाताचीं कामां मात करताले. पावसा खातीर गांवांतले भुरगेय सारके वेळार शाळेंत वचनासले.

शाळेंत वचपाक आनीक एक आडखळ आसली. शाळा गांवां-पासून बरीच पयस म्हळचार तीन चार किलो मिटरांच्या अंतरार आसली. मारग कसलो, वाटच आसली ती. आनी मदींच एक व्हाळ हुपून वचचें पडटालें. गिमांत व्हाळ सुको सडसडीत जातालो पूण पावसांत मात भरून व्हांवतालो. थंय आजून सांकव बांदूंक नासलो.

आठ दीस पडिल्ल्या पावसान व्हाळाक सुमाराभायलें उदक आयिल्लें. त्या उदकांतल्यान येवपावचपाक जाणटेले लेगीत कांच-वेताले. ल्हान भुरगीं तर उदकाक पळोवनूच आंग काडटालीं. मातशे आडसाठे भुरगे मोटचा धाडसान व्हाळा पलतडीं वताले. तांचीं कलसांवां अर्दीं सुमार भिजतालीं.

ल्हान भुरगीं व्हाळाचे भिरांतीन शाळा सोडून घराच बसून आसलीं.

णव्या दिसा पावस मातसो थाल्लो तशीं गांवांतलीं भुरगीं शाळेंत वचपाक भायर सल्लीं. कांय जाणटेल्यांनी आपणाल्या भुरग्यांक व्हाळापलतडीं पावयलीं.

शाळेंत वचपी भुरग्यांच्या जोम्यांत पांच वरसांचें कमल आसलें. ताच्या बापायन ताका खांदार बसयलें. कमलान उदक पळोवन किळांच माल्ली.

"आवय!"

"भियेवं नाका गो!" बापायन ताका धीर दिलो.

कमलान भंयान दोनूय दोळे गच्च आंवळून धल्ले.

"देंव." बापायन ताका व्हाळा पलतडीं पावयलें.

"हांव मागीर कशें येवं?"

"तुजी शाळा सुटपाच्या वेळार हांव तुकां व्हरूंक येतां." बापायन धुवेक धीर दिलो आनी ताणे मनूक उलो माल्लो.

"ए मनू, म्हगेल्या कमलाचेर मातशी नदर दवर आं."

सगळीं भुरगीं शाळेंत गेलीं. खूब दिसांनी शाळा गच्च भरिल्ले· वरी दिसली.

मदली सुटी जावन गेली. तेन्ना भायर बरें कडकडीत वोत पडिल्लें. पूण अचकीत मळब काळें जालें. आनीक मातशान पावस झडटलो अशें दिसपाक लागलें. शाळा सुटपाक आनीक वरभर आसलें. पूण पावसा आदीं भुरग्यांनी घरा पावचें म्हण मास्तरान शाळेची घांट मारपाक लायली.

भुरगीं उमेदी जावन कलकल करीत भायर सल्लीं आनी आपणाल्या घरचे वाटेक लागलीं.

ल्हान भुरगीं व्हडल्या भुरग्यांचे फाटल्यान धांवपाक लागलीं सगळ्यांच्या पोटाक भूक लागिल्ली. धांवपाक बळगें नाशिल्लें पूण

म

पावसान भिजचीं न्हय म्हण सगळींच बळयां नेट हाडून धांवतालीं. कोणें पुस्तकां खाक्यांत तर कोणें माथ्यार धरिल्लीं.

सगळ्यांचे फाटल्यान मनू भायर सल्लो. तो मातसो निरशेल्लो. आज मास्तरान वर्गांत ताचेर मातशी तापय काडिल्ली. मास्तरान विचारिल्ल्या पुस्तकांतल्या एका प्रस्नाची जाप ताका खबर नासली. तेन्ना मास्तरान ताका थोमणो मारिल्लो.

" शिकप सोडून हेर उदचेग कर. "

तो घराची वाट माड्डुवपाक लागलो. पावस पडटासो जातालो. पूण तो धांवलो ना.

" भिजल्यार भिजूं. " ताणें मनांत म्हळें आनी तेच मंद गतीन तो चलपाक लागलो.

" केदोय पावस आयल्यार धांवचों ना म्हळचार धांवचोंना. " ताणें आपणाचेरूच राग काडीत म्हळें.

पांचेक मिनटां तो चल्लो आनी अचकीत भुरग्यांचो बोवाळ ताका आयकूंक आयलो. तीं बोबो आनी हुयेली मारतालीं. येदोवेळ सवकासायेन चलपी मनूच्या पांयांत अचकीत वीज संचारली. पांयांक चक्रां आशिल्लेवरी तो धांवपाक लागलो.

सगळीं भुरगीं व्हाळाकडेन जमिल्लीं आनी हात वावडून मोटा-मोटयान किळांची मारतालीं. थोडीं आयले तडीक तर थोडीं पयले तडीक आसलीं.

कितें घडलां म्हणटा तें खीणभर मनूच्या लक्षांत आयलेंना. सगळीं भुरगीं वांगडाच कलकल करतालीं ते खातीर कोणाचेंच कितें ताका सारकें आयकूंक येना आसलें.

खर्शेत खर्शेत तो व्हाळाचे देगेर पावलो. व्हाळांत कोण तरी भुरगें व्हांवत गेलां म्हणपाचें ताणें ताडलें. कोणेतरी ताका बोट

करून दाखयलें.

व्हाळांत एक ल्हान भुरगें व्हांवत वतालें. तें मदीं मदीं हात-पांय वयर काडटालें. तकली उबारतालें.

मनून खांद्यावयलो बोटवो कुशीक भिरकायलो आनी शाळेच्या कपडयांनी व्हाळांत लोटून दिलें. उदकाच्या लोटाबराबर तो सकल व्हांवून वचपाक लागलो. ताका कमरा वयर उदक जातालें. ताचे पांय मातमात तळाक तेंकताले. तोल सांबाळूंक जमनासलें. तो व्हाळाच्या कडांक आपटतालो आनी तसोच उदकाबराबर लोट्टालो. उदक खदोळ जावन तांबडें जाल्लें. मदीं मदीं उदक मनूच्या नाखा तोंडांत रिगतालें पूण ताची ताका पर्वा नासली.

ताणें मुखार पळयलें. तें माणकुलें भुरगें बऱ्याच नेटान पेल्ल कशें व्हांवन वतालें. तें एका खिणांत उदकांत तर एका खिणांत वयर उफेतालें.

मनून आनीक बळ हाडलें. आतां व्हाळाक बरीच खोलाय आसली.

मनूक हडडयामेरेन उदक जातालें. तें भुरगें आनी मनू हांच्यांत आतां धाएक फुटांचे अंतर आसलें. कांय खिणांभितर आपूण त्या

भुरग्याक घट धरतलों अशें मनूक दिसलें आनी त्याच खिणाक तीं दोगांय व्हाळाच्या एका मोडणार पावलीं. थंय व्हाळाची व्हांवती वांकडी सरिल्लो. थंय गच्च कांटयारीं झोपां आसलीं.

तें भुरगें कांटयारेक फारावन अडून उल्ल्यार पुरो अशें मनूक दिसलें. तशें जाल्यार मागीर रोखडेंच तो ताका धरूंक पावतलो आसलो.

पूण तशें जालें ना. कांटयारेक त्या भुरग्याची मुस्तायकी फारावताशी जाली आनी तें परतें व्हांवपाक लागलें. मनू त्या मोडणार पावपाक तें पयस पावलें आनी मनूचें खोमीस मात ते कांटयारेक फारावलें. कशेंच सुटना जालें. भुरगें तर फुडें फुडें व्हांवत आसलें. आनीक थोडया अंतरार व्हाळाचें तोंड न्हंयेक मेळटालें. एक फावट भुरगें न्हंयेंत पावल्यार मागीर कसलीच आस्त धरून उपेग नासलो.

मनून स्वास अंदून धल्लो. व्हाळाच्या एका फातराक पांय तेंकोवन कांटयापासून कुशीक सल्लो. कांटयांतल्यान तो भायर सुटलो पूण ताच्या खोमसाचो फाटिचो कुडको मात पिंजून कांटयारेक फारावन उल्लो. फाटीं वळून पळोवपाक ताका फुरसत नासली.

आतां उदक गळोभर जाल्लें. फकत मदीं मदीं तळाक पांय तेंकताले.

मनून व्हाळाचे एके कडेक उजवो पांय तेंकयलो आनी ‘ च्यूंवऽऽ ’ करून उदकाच्या लोटान आपली कूड लोटून दिली. उदकाच्या दुपेट वेगान तो मुखार पावलो.

मुखा वयल्यान ताका न्हंय दिसताली. तो भुरग्याचे सामको म्हन्यांत पावलो. ताणें उदकांत बुडी माल्ली. भुरग्याचे बगलेक

पावलो. ताचे मुस्तायकेक ताणें हात घालो आनी रोखडेंच मनगट घट धल्लें. आपणालो दुसरो हात ताणें धडेच्या फातराक धल्लो. कांय वेळान पांय घट रोमून ताणें भुरग्याक वयर उबाल्लें. तें भुरगें म्हळचार कमल आसलें.

व्हाळाचे धडेर तो चडलो. खांचीतल्यान वाट काडीत वयर आयलो. कमल मात्तूय साबुद्दीर नासलें. उदक पियेवन ताचें पोट तट्टटीत फुगिल्लें.

वयर येना फुडें मनून कमलाक पांयांक धरून उरफाटें केलें. ते सरशीं ताच्या तोंडांतल्यान गळागळा करून उदक रकपाक लागलें.

कांय वेळान व्हाळाचे धडे वयल्यान गांवांतले लोक बोवाळ घालीत आयले. तांणीं कमलाक उबाल्लें आनी ताच्या पोटांतलें उदक काडपाचे उपाय चलयले. कांय वेळान कमल सावचीत जालें.

कमलाच्या बापायन उपकारा भारान मनूक घट वेंग माल्ली.

मनूचें आंग कांटयो लागून आनी फातरांचेर आदळून सल्पल्लें. ल्हान ल्हान घायांतल्यान मातशें रगतूय व्हांवतालें.

सगळयांनी मनूची तोखणाय केली. लोकांचे गर्दंत तागेलो तो मास्तरूय आसलो जाणें आज शाळेंत मनूचेर तापय काडिल्ली. त्या मास्तरान मनूची फाट थापटून ताका शाबासकी दिली.

मनूक सगळो शीण व्हांवून गेल्लेवरी दिसलें. मळबांत दाटून आयिल्लो पावस पडलोच ना. मळब आसलें तशें निवळ जालें.

■ ■ ■

: ८ :

गांवांत मनूचो भौमान

मनू काणयांचें पुस्तक वाचीत बशिल्लो.

"मनू, भायर यो रे." आवयन ताका भायर आपयलो.

"पळय रे, कोण येतात ते."

मनून पडवे वयल्यान भायर पळयलें. "सरपंच आनी आनीक दोग जाण."

मनू तांकां वळखलो.

"खंय वतात रे ते?"

"आमगेरच येतातशे दिसता."

आवयच्या पोटांत कल्ल जालें.

"सरपंच आनीक आमगेर कित्याक? मनू, तुवें गांवांत कितेंय नावरूप बी करूंक ना मरे?" आवयन भियेवन ताका विचाल्लें. अितले म्हणसर सरपंच आनी ताचेबरोबरचे दोगजाण सोंपणां चडून वयर पडवेर आयले.

"कसो आसा मनू?" सरपंचान हांसत मनूची फाट थापटिली. एस्. एस. सी. चे पेपर बरे बरयल्यात मरे?"

"हय."

मनूचे आवय, तुमकां एक बरी खबर सांगपाक आमी आयल्यांत."

आवयच्या जिवाक आतां बरें दिसलें.

" कसली खबर ? "

" गांवचे वतीन आमी मनूचो भौमान करपाचें येवजिलां.

" कित्याक ? "

" कित्याक म्हणचे ? गांवाखातीर हो येदोसो भुरगो खूब वावुरला. आमकां ताचो अभिमान भोगता. "

मनूक खूब खूब खोस जाली. मनूचे आवयन सरपंचाक आनी वांगडच्यांक च्या करून दिली. मनूक आनी आवयक सत्काराच्या दिसाची कल्पना दिवन ते परते गेले.

फुडल्या म्हयन्याचे पांच तारखेर मनूचो भौशीक सभेंत गांवचे वतीन भौमान करपाचें थारायिल्लें. म्हळ्यार भौमानाक पांचूच दीस उरिल्ले. मनू भुल्लसलो. ताचें तोंड खोशयेन फुलून आयलें. पूण अचकीत एका उगडासा सरशीं ताचें तोंड बावलें.

आरे ! पांच तारखेर म्हजो भौमान आनी स तारखेर एस. एस. सीचो रिजल्ट! पांच तारखेर म्हजी तोखणाय जातली आनी दुसऱ्या दिसा निकाल लागतलो. हांव पास जालों जाल्यार दुदांत साकर पडटली. पूण नापास जाल्यार ? आदल्या दिसाची सगळी उमेद भंगतली. शे ! हो भौमान जायना जाल्यार बरें जातलें आसलें ! पूण आतां कसलो उपाय आसा ? भौमान नाका म्हण हांव कशें सांगतलों ? आनी कारण तरी कितें सांगतलों ?

मनूचें मन अस्वस्थ जालें. परिक्षेच्या निकालान ताची न्हीद चाळवली.

आपूण पास जातलों म्हणपाचो ताका भरवंसो आसलो पूण ताचें मन बेश्टेंच दुबावतालें.

मनून तकली थंड करपाचो यत्न केलो. आपणाली भिरांत

खरी काय फट तें सोदून काडपाचो तो यत्न करूंक लागलो.

ताणें आपणाकूच प्रस्न केलो. आपूण नापास जातलों ? कित्याक? आपणें सारको अभ्यास केला. केन्नाय कसल्या कामाक लागून शाळा चुकल्या पूण मागीर आपणें तितलो अभ्यास भरून काडला. बाकिच्या भुरग्यांवरी आपणें गायड वापरूंक ना. पूण पुस्तकांतल्यो जापो बरे भशेन सोदून काडल्यात.

पेपर तर बरे बरयल्यात. पेपर बरोवन जातकच कितले मार्क पडटले ताचो अदमास केला. दर पेपरांत सत्तर पंच्यास्तर मार्क मेळटले अशें खात्रीन दिसता. मागीर नापास जातलोंच कसों ?

तरी पूण दुबावाची पाल ताच्या मनांत चुकचुकलीच.

पांच तारीख उजवाडली. सांजच्या आदेसाक पंचायतेची कार्या-वळ आसली. मनू भायर सरपाचे तयारेक लागलो. आवयन म्हळें, " मनू हांव आनीक थंय कित्याक ? "

" कित्याक म्हणचे ? "

" म्हाका कितें कळटा तांतुतलें ? "

" तांतूंत कळपाचें कितें आसा ? तुवें येवंकूच जाय. तूं येना जाल्यार हांवूय वचना. "

" अशें उलोवं नाका पुता. येतां हांव. सगळो गांव येतलो. आवय आसून हांव कशी येना आसतना रावूं ?"

आवय आनी पूत भायर सरिल्लीं मात इतल्यान सरपंच आंग-णांत पावलो.

" चला, तुमकां व्हरपाक आयलां. "

सरपंच व्हरपाक आयिल्ल्याचें पळोवन दोगांकूय खोस भोगली.

गांवांत ग्रामपंचायतेचे कचेरी कुशीक एक मळ आसलें. थंय कार्यावळीखातीर माची घातिल्ली. माचयेर चार पांच कदेली

दवल्लेल्यो. मुखार मेज मांडिल्लें. माचयेचे मुखार लोकांक बसपा-खातीर दोशींवशीं कदेली मांडिल्ल्यो. मदीं भुरग्यांक बसपाखातीर जमखन हातुरलेलें. माचयेचे आशीकुशीक रंगीत बनेरां सुताचेर हुमकळटाळीं. माचयेचे दोशीं वशीं दोन कर्णे लायिल्ले. तांचेर गोड बरीं पदां वाजतालीं. हो दबाजो गांवकाऱ्यांनी पटी काडून घडोवन हाडिल्लो.

सरपंच मनूक घेवन पावलो तेन्ना सगळे लोक गर्दी करून जमिल्ले. गर्दींत मनूच्या वर्गांतले भुरगे आनी शाळेंतले हेर विद्यार्थी आसले. शाळेंतले मास्तर आनी गांवांतले भौतेक वळखिचे सगळे लोक हाजीर आसले.

मनू पावलो तेन्ना सगळ्यांनी ताळयो मारून ताका येवकार दिलो. मनूची आवय माचयेसकल बायलांमदीं वचून बसली.

सरपंचान मनूक हाताक धरून वयर माचयेर व्हेलो आनी मदले कदेलीर व्हरून बसयलो. सगळे जाण मनूकडेन तोखणायेन मानो बागोवन पळोवपाक लागले.

सत्कार समारंभाचो यजमान आसलो गांवांतलो सगळ्यांचे वळखिचो आनी मायेस्त सभावाचो तातोवैज. तातो मनूचे कदेली-कुशिचे कदेलीर येवन बसलो आनी ताणें ताची फाट तोखणायेन थापटिली.

दबाज्याची कार्यावळ सुरू जाली. सुरवेक सरपंचान सगळ्यांक येवकार दिलो आनी मनूच्या वावराची तोखणाय करपाक लागलो:

"शेणिल्ल्या बैलाचो सोद लावपाक मनून मोटी तकली लडयली आनी बैल हाताभायर वचपाचो तें वाटयलें. नाडंग नारायणाचीं फटिंगपणांय ताणें उकताडा हाडलीं. पर्तेलाच्या दोंगराचें गुपीत ताणें सोदून काडलें. आनी इतलो तेंप कुड्डेपणान

मन

वागपी आमकां गांवांतल्या मनशांक जाग्यार हाडले. चंद्रूक मरणां-तलो वाटोवपाचें काम मनूनच केलें. मध्यान रातीर ताणें सायकलीर बसोवन ताल्याक हाडिना जाल्यार चंद्रू कसोच हाताक लागचो नासलो. गरीब भुरग्याक फॉर्म फी जाय म्हण मनून लोकलजेची पर्वा करिनासतना भीक मागली. आपणाल्या जिवाची पर्वा करिनासतना व्हांवत्या व्हाळांत घालून घेवन ताणें माणकुल्या भुरग्याचे प्राण वांचयले. नाजाल्यार अनर्थ घडटलो आसलो. फुडले खेप अशें घडचें न्हय म्हण ग्रामपंचायतीन त्या व्हाळाचेर फुडलो पावस येवंचे आदीं सांकव बांदपाचें येवजिलां."

लोकांनी उमेदीन ताळयो माल्ल्यो. सरपंच मुखार उलोवपाक लागलो.

"कोणाक खबर नाशिल्ल्यो अशो मनूच्या कर्तुबांच्यो आनीक दोन गजाली हांव आज उकत्यो करतां. भुतांखणींत दुडवांनी खेळपी वायट चलणुकेच्या खेळगड्यांचेर गरंजेलाचो फार मनूनच केल्लो."

लोक खोखो करून हांसले आनी तांणी तोखणायेन ताळयो वाजयल्यो.

सरपंत उलयत आसलो.

"त्या दिसाच्यान खेळ बंद जावन गांवांतली व्यसनाची एक कीड भायरी जाली. दुसरी गजाल ह्या गांवांत एका पुतान आपणें सोरो पियेवन बेबदचा बापायक जाग्यार हाडून ताका पश्चात्तापान सोरो सोडपाक लायलो. पूण खरी गजाल अशी– मनूनच त्या भुरग्याक बेबदचाचें संवंग वठोवपाक लायिल्लें. ताका लागून एका मनशान सोरो सोडून एक घराबो सुखी जावंक पावलो. असो गिन्यानी, धाडसी, शिटूक, चवकस, सोंशीक, मायेस्त, सगुणी

भुरगो आमच्या गांवांत आसा म्हण आमकां अभिमान भोगता. अशे मनू दर गांवांतल्यान निर्माण जाल्यार आमचो देश सगळ्या मळांचेर उदरगत करूंक पावतलो.

सरपंचाच्या भाशणाउपरांत मनूचे शाळेंतल्या हेडमास्तराचें उलोवप जालें. ताणें मनूची तोखणाय केली. मनूची देख दुसऱ्या भुरग्यांनी घेवंची अशें सांगलें. उलोवप सोंपयतना ताणें म्हळें:

" फाल्यां एस. एस. सी चो रिजल्ट आसा आनी म्हाका खात्री आसा मनू बऱ्या मार्कांनी पास जातलो. "

लोकांनी ताळयो माल्ल्यो आनी रिजल्टाच्या उगडासान मनूचें तोंड परतें बावलें. तो अस्वस्थ जालो. कार्यावळ मुखार चलत आशिल्ली. एकलो एकलो मनूची तुस्त तोखणाय करीत आसलो आनी लोक एकासारक्यो ताळयो मारीत आसले.

लोकांमदीं बशिल्ले मनूचे आवयचें पुताच्या अभिमानान हड्डें फुलून आयिल्लें. आपणाल्या पुताचे कवतूक ती दोळे भरून पळयताली.

मनूचें चित्त मात जाग्यार नाशिल्लें. नाका आशिल्ले विचार ताका धोंगशिताले.

आपूण नापास जालों जाल्यार फाल्यां हेच लोक कितें उलयतले ? आवयक कितें दिसतलें ? म्हजो दुस्वास करपी भुरग्यांक केदी खोस जातली ?"

" मनू, कितें येवजिता ? " तात्यान ताका हडकिलो आनी तो आपणाल्या चिंतनांतल्यान भानार आयलो. कार्यावळींतलो एक मुखेल भाग सुरू जालो.

सरपंचान गांवचे वतीन मनूक फुलांचो हार घातलो. आनी माचयेचे फाटल्यानसान एकल्यान एक नवीतालल सायकल हाडून

मुखार दवल्ली. सरपंचान मायकार येवन सांगलें, "आमी गांवचे-वतीन ही सायकल मनूक भेट दितांत."

परतो ताळयांचो गजर जालो. मनू उठलो आनी ताणे सायकलीक हात लावन कांपीण वाजयली.

लोकांनी खोशयेन परत्यो ताळयो माल्ल्यो.

इतल्यान गर्दंतल्यान 'क्लीक' जालें. सगळयांनी तेवटेन पळयलें. एक अनवळखी फोटोग्राफर ते गर्दंत उबो आशिल्लो. मनू सायकलिची कांपीण वाजयता आसतना दिस्त ताणें फोटो घेतिल्लो.

सगळयांक अजाप जालें. कार्यावळी खातीर काय कोणें फोटोग्राफराक आफोवंक नासलो. हो फोटोग्राफर मदींच कसो आयलो हाचें सगळयांकूच अजाप जाल्लें.

तो फोटोग्राफर माचयेर चडलो आनी ताणें तातो वैजाच्या कानांत कितें तरी सांगलें तशें तात्याचें तोंड खोशयेन रंगलें. फोटोग्राफरान आपल्या हातांतले कांय पेपर तात्याक दाखयले.

आतां तात्याचें यजमानपणाचें उलोवप जावपाचें आसलें. तातो संतोसभरीत जावन उठलो आनी मायकामुखार येवन उबो रावलो. फोटोग्राफराचें कुवाडें तातो आतां सांगतलो म्हण सगळे उमळशिकेन कान दिवन रावले. तातो उलोवपाक लागलो :

"आयचे उमेदिच्या सुवाळयांत आनीक एक उमेदिची गजाल घडल्या. हो आतां आयला तो फोटोग्राफर शारांतल्या एका नेमाळयाचो जावन आसा. ताच्या संपादकान ताका हांगा मुजरत धाडला आनी मोटरसायकल घेवन तो इतले पयससावन हांगा आयला. मनूचो फोटो आनी मुलाखत ताका फाल्यां नेमाळयांत छापूंक जाय. कित्याक जाणां, आमच्या गांवच्या मनून इतले पराक्रम करून आज आनीक एक व्हड पराक्रम केला. मनूक लागून आज

आमच्या गांवाक व्हड नाभना मेळूंक पावल्या. मनून कसलो पराक्रम केला तें आयकुपाक तुमी कानाचे पड्डे ताणून रावल्यात हें हांव जाणां. आयकयात."

"मनू एस एस. सी चे परिक्षेंत गोंयांत पयल्या नंबराक पास जाला."

ताळयांच्या शिवरान आनी मनूच्या जयजयकारान सगळो वाठार दणदणून गेलो. लोकांनी आनीक वाट पळेली ना मनूक उबाल्लो आनी ताका मस्तकार घेवन ते नाचोवपाक लागले.

■ ■ ■

पुंडलीक नारायण नायक

हांगेली बरपावळ

- ※ रानसुंदरी (बालनाटय)
- ※ गांवधनी गांवकार (एकांकी संग्रह)
- ※ मुठय (कथा)
- ※ पिशान्तर (कथा)
- ※ बांबर (नवलिका)
- ※ अच्छेव (नवलकथा)
- ※ गा आमी राखणे (कविता)
- ※ खण खण माती (खेळ)
- ※ रक्तखेव (खेळ)
- ※ राखण (खेळ)
- ※ छप्पन्न थिगळी येसवंत (एकपात्री)
- ※ सुरींग (खेळ)
- ※ मुक्तताय (खेळ)
- ※ शबै शबै भौजनसमाज (खेळ)
- ※ चोरंग (एकांकी संग्रह)

• • •